# कोंकणी कथांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी

## (Konkani Kathantlya Vakprachaar, Mhani Aani Venchik Utranchi Arthavni)

A Dissertation for

Course code and Course Title: KON-650 Dissertation

Credits: 16

Submitted in partial fulfilment of Masters Degree

MA in Konkani

by

**Ms. Trupti Kishor Madgaonkar**

Seat Number: 22P0180013

ABC ID: 524293493525

PRN: 201809267

Under the Supervision of

**Dr. (Ms.) Ramā Murkunde**

Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Discipline of Konkani

**Goa University**

**April 2024**

# कोंकणी कथांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी

**(Konkani Kathantlya Vakprachaar, Mhani Aani Venchik Utranchi Arthavni)**

A Dissertation for

Course code and Course Title: KON-650 Dissertation

Credits: 16

Submitted in partial fulfilment of Masters Degree

MA in Konkani

by

**Ms. Trupti Kishor Madgaonkar**

Seat Number: 22P0180013

ABC ID: 524293493525

PRN: 201809267

Under the Supervision of

**Dr. (Ms.) Ramā Murkunde**

Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Discipline of Konkani

**Goa University**

**April 2024**

Examined by: Seal of the School

## DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation report entitled, **'कोंकणी कथांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी'** is based on the results of investigations carried out by me in the Discipline of Konkani at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University under the Supervision of Dr. (Ms.) Ramā Murkunde and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

Ms. Trupti Kishor Madgaonkar

Seat no: 22P0180013

Date: 15 April 2024

Place: Goa University

# COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation report **'कोंकणी कथांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी'** is a bonafide work carried out by **Ms. Trupti Kishor Madgaonkar** under my supervision in partial fulfilment of the requirements for the award of the degree of Masters of Arts in the Discipline of Konkani at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University.

Dr. (Ms.) Ramā Murkunde

**Discipline of Konkani**

Date: 15 April 2024

GOA UNIVERSITY SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE TALEIGAON PLATEAU

School Stamp

Prof. Anuradha Wagle

Dean, Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Date: 15 April 2024

Place: Goa University

# प्रस्तावना

‘कोंकणी कथांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी’ हो कोंकणी कथेंतले वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांचे संकलन, अर्थावणी आनी देखी दिवपाचो वावर पयलो वयलो आसा.

प्रस्तूत सोद वावर स प्रकरणांनी विभागला. पयल्या प्रकरणांत; विशयाची प्रस्तावना, हेतू, आवाठ, मर्यादा, संशोधन पद्दती तशेंच प्रकरणांची मांडणी नमूद केल्या. दुसऱ्या प्रकरणांत; कथेची व्याख्या, घटक आनी इतिहास दिला. तशेंच तिसऱ्या, चवथ्या आनी पांचव्या प्रकरणांत; वेचींक उतरां, वाक्प्रचार आनी म्हणींची व्याख्या आनी तांचे संकलन, अर्थावणी करून देखी दिल्यात. जाल्यार सव्या प्रकरणांत; पुराय अभ्यासाचो समारोप आनी निश्कर्श रितसर मांडला.

हे प्रबंधिकेंतल्यान वाक्प्रचारांचो सरळ आनी आड अर्थ समजतलो, कांय उतरां शब्दकोशांत मेळनात तांचे अर्थ देखी सयत मेळटले. तशेंच मोट्या प्रमाणांत कथेंतले वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवीं उतरां उपलब्द जातली.

# उपकार

खंयचेय काम पूर्ण करपा खातीर हेरांचो सांगांत खूब म्हत्वाचो आसता. तसोच ही प्रबंधिका पुराय करपा खातीर अनेक मनशांची म्हाका मदत जाली. त्या खातीर तांचे उपकार मानप गरजेचे आसा. हांव सगल्यांत पयलीं गोंय विद्यापीठाचें उपकार मानता, गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू, सि. प्रो. हरिलाल मॅनन तशेंच कुलसचीव, सि. प्रो. व्ही. एस. नाडकर्णी हांकां हांव काळजा सावन देव बरें करूं म्हणटा.

तशेंच गोंय विद्यापीठाचे शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशालेची अधिश्ठाता प्रो. अनुराधा वागळे, उप-अधिश्ठाता प्रो. वृशाली मांद्रेकर, उप-अधिश्ठाता डॉ. प्रकाश पर्येकार आनी सतत योग्य सल्ले दिवन उर्बा वाडोवपी महाशालेचे कोंकणी अध्ययन शाखेचे संचालक, डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांणी दिल्ल्या प्रोत्साहना खातीर तांकां नमळायेन दिनवासतां.

प्रस्तूत प्रबंधिकेचें काम करतना म्हजें योग्य रितीन मार्गदर्शन केल्ले खातीर आनी म्हाका आयिल्ल्यो सगळयो अडचणीं समजून घेतिल्ले खातीर हांव म्हजी मार्गदर्शक, स. प्रा. डॉ. रमा मुरकुंडे हांचे मनांतल्यान उपकारी आसा. तांणी ह्या सोद वावराक ज्यो सुचोवण्यो दिल्यो, वेळार काम करपाक शिकयले, तशेंच जेन्ना जेन्ना हांव आडखळळें, घुस्पलें तेन्ना तेन्ना म्हाका तांणी योग्य वाट दाखयली. त्या खातीर हांव तांचे माना काळजा सावन उपकार मानता.

म्हाका सदांच साथ दिवपी म्हजो आवय-बापूय, करिश्मा किशोर मडगांवकर तांचे हांव सदांच उपकारी. तांणी दिल्ल्या प्रोत्साहना खातीर तशेंच सोद वावर करतना मेळिळल्ली तांची मदत खूब लाभदायक थारली. हो सोद वावर करतना म्हजी विचारपूस करपी म्हज्या पुराय शिक्षक वर्गाक आनी कर्मचारी वर्गाक हांव दिनवासतां. तशेंच वैभव, संजना आनी हेर इश्टांच्या मदतीन हांव हो अभ्यास पुराय करपाक पावलें.

अखेरेक, अडी अडचणेंतल्यान म्हाका सांबाळून घेवन म्हजे कडल्यान हो अभ्यास पुराय करून घेतिल्ले खातीर देवाचे हांव उपकार मानता. तशेंच प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रुपान म्हाका जांची जांची मदत जाली तांचेय उपकार मानतां.

कु. तृप्ती किशोर मडगांवकर थळः गोंय विद्यापीठ

# तकटे


| तकटो क्र. | माथाळो | पान क्र. |
|---|---|---|
| 3.1. | प्रकाशीत जाल्ल्या कोंकणी कथा संग्रहांचो तकटो | 24 |
| 3.2 | दशका प्रमाण कथा संग्रहांची वळेरी | 25 |
| 6.1 | एका वाक्प्रचारांचो वापर कितले फावटी जाला? | 90 |
| 6.2 | दशकां प्रमाण लेखकांनी केल्लो वाक्प्रचारांचो वापर | 91 |
| 6.3.1 | अभ्यासा खातीर निवडिल्ल्या दर एके कथेंत मेळिळल्ले वाक्प्रचार | 92 |
| 6.3.2 | अभ्यासा खातीर निवडिल्ल्या दर एके कथेंत मेळिळल्ले वाक्प्रचार | 92 |
| 6.4 | दशका प्रमाण लेखकांनी केल्लो म्हणींचो वापर | 94 |
| 6.5 | दर एका कथाकारान आपल्या कथा संग्रहांत वापरिल्ल्यो म्हणी | 95 |

# सारांश

भाशेचें खाशेलेंपण म्हळयार वाक्प्रचार आनी म्हणी. त्यो प्राचीन काळा पसून मनशां मदीं मुखार घोळत आसात. उपाट अणभवांत भरिल्ले हे वाक्प्रचार आनी म्हणी पिळग्यान पिळग्यो मौखीक रुपान चलत आयल्यात. सदच्या जिवितांत आमी वापरतात तें वाक्प्रचार आनी म्हणीं लिखीत रुपांत खूब कमी प्रमाणांत मेळटात. तशेंच, कथाकार आपल्या कथांनी कांय नव्या उतरांचो वापर करता तेन्ना वाचकाक ताचो अर्थ समजना. बोलयेंतलीं आनी प्रादेशीक उतरां शब्दकोशांतय उणीच आसतात. देखून कोंकणीं कथेंतल्या वेग-वेगळ्या वाक्प्रचार, म्हणी वा उतरांचे संकलन करून ताची अर्थावणी दिवपा खातीर हो वावर करप गरजेचें थारता. प्रस्तूत प्रबंधिकेंत कोंकणींत प्रकाशीत कथा संग्रहाची रितसर वळेरी कल्या. कथांचे वाचन करून वाक्प्रचार, म्हणी आनी नव्या उतरांचें संकलन केलां. तशेंच संकलन करून तांचे अर्थ बरोवन, वाक्यांत उपेग केलो आनी निमाणें कडेन एकठांय केल्ल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी नव्या उतरांचें वर्गीकरण केले. ही प्रबधिका पुराय करतना तुळा करून पळयतकच कोंकणी कथाकार कितले वाक्प्रचार आनी म्हणींचो वापर करतात ताचेर निश्कर्श मांडला. तशेंच काळांतरान वाक्प्रचारांचो आनी म्हणींचो उपेग बरोवप्यांनी कितल्या प्रमाणांत केला हे स्पश्ट जाला. प्रस्तूत प्रबंधिकेंतल्यान बऱ्याच प्रमाणांत वाक्प्रचार आनी म्हणींचे संकलन जाला.

**विशय केंद्रीत उतरां:** कोंकणी कथा, वाक्प्रचार, म्हणी, वेंचीक उतरां, अर्थावणी, संकलन

## मांडावळ


| प्रकरण | माथाळो | पान क्र. |
|---|---|---|
| | प्रस्तावना | i |
| | उपकार | ii-iii |
| | तकटे | iv |
| | सारांश | v |
| **1** | **विशय प्रवेश** | **1-10** |
| | 1.1. प्रस्तावना | |
| | 1.2. संशोधन प्रस्न | |
| | 1.3. अभ्यासाची उद्दिश्टां | |
| | 1.4. अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा | |
| | 1.5. साहित्य नियाळ | |
| | 1.6. सोद वावराची पद्दत | |

1.7. प्रबंधिकेची उपयुक्तताय

1.8. प्रकरणाची मांडावळ

**2. कथा- व्याख्या, घटक आनी इतिहास 11-22**

2.1. कथेची व्याख्या

2.2. कथेचे घटक

2.3. कथेचो इतिहास

2.3.1. कोंकणी कथेचो इतिहास

**3. वाक्प्रचार- व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी 23-76**

3.1. वाक्प्रचाराची व्याख्या

3.2. वाक्प्रचाराचें संकलन- अर्थावणी आनी देखी

**4. म्हणी- व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी 77-84**

4.1. म्हणीची व्याख्या

4.2. म्हणीचें संकलन- अर्थावणी आनी देखी

| | | |
|---|---|---|
| **5.** | **वेंचीक उतरां- संकलन, अर्थावणी आनी देखी** | **85-87** |
| | 5.1. वेंचीक उतरांचें संकलन- अर्थावणी आनी देखी | |
| **6.** | **समारोप आनी निश्कर्श** | **88-96** |
| | **संदर्भ** | **97-102** |

# प्रकरण 1: विशय प्रवेश

## 1.1. प्रस्तावना

मनीस हो समाजीक प्राणी आनी भास हें मनशां-मनशां मदीं संबंद जोडपी माध्यम. भास अभिव्यक्तिचें साधन आसता. ताका लागून एका मनशाच्या मनांतलें विचार दुसऱ्यांक समजतात. मनशाची सामाजीक जीण भाशेचेर आदारून आसता. दर एके भाशेची संरचना दुसरें भाशें पसून वेगळीं आसता. सदच्या वेव्हारांतली भास एकेच तरेची आसना. तातूंत बोली भास, वेपारी भास, सरकारी भास, धार्मीक भास, तशेंच शिकपी भुरग्यांच्याय भाशेचो आस्पाव आसता.

भाशेचें खाशेलेपण म्हळयार म्हणी आनी वाक्प्रचारांचो केल्लो वापर. म्हण वा वाक्प्रचार म्हळयार भौसाक आयिल्लो अणभव जो भाशेंतल्यान व्यक्त जाता. मनीस संवसारांत वावुरतना जे अणभव घेता, तो भाशेच्या आधारांत मेजक्याच उतरांनी हेरां मुखार हाडपाचो यत्न करता. लांबचे-लांब उतरांनी सांगचे बदला कमी उतरांनी सांगपा खातीर त्यो निर्माण केल्यात. वाक्प्रचार आनी म्हणी पिळग्या-पिळग्यांनी मौखीक रुपांत मनशां मदीं घोळत आयल्यांत.

जी भास मौखीक स्वरुपांत घोळटाली ती लिखीत स्वरुपांत येवपाक लागली तेन्ना साहित्याची निर्मणी जाली. साहित्यांत कितलेशेच प्रकार मेळटात, तातूंत कथा, कादंबरी सारकिले प्रकार आसात. ह्या साहित्य प्रकारांत लेखक आपल्या साहित्य कृतींत वाक्प्रचार, म्हणी आनी कांय नव्या उतरांचो वापर करता. आपल्या अणभवचो आनी कल्पनेचो वापर करून आटीव उतरांनी वाचका मुखार एक विचार मांडटा. त्या उतरांक वेगळो अर्थ लावन वाचकाक तो समजपाक लायता. हातूंत साहित्यकृती बरी फुलपाक शकता.

लेखक आपल्या कथांनी वाक्प्रचार, म्हणी आनी नव्या उतरांचो उपेग करता तेन्ना तांची वेगळी विस्कटावणी दिल्ली आसना. ताची वेगळी विस्कटावणी करून मुखार तांचो अर्थ दिवप गरजेचें थारता. ताका लागून प्रस्तूत अभ्यासांत 'कोंकणी कथांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी' कोंकणींत प्रकाशीत जाल्ल्या कथा संग्रहांतले वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवीं उतरां सोदून काडून तांचो अर्थ बरोवन तांचो वाक्यांत उपेग करपाचो हावेस आसा.

## 1.2. संशोधन प्रस्न

सदच्या जिवितांत आमी वापरतात तें वाक्प्रचार, म्हणी वा कांय उतरांचेर आमी भर दिनात आनी तांची खंय नोंद केल्लीय आमकां उणी मेळटात. कोंकणींत म्हणींचें संकलन केल्लीं पुस्तकां मेळटात

पूण वाक्प्रचारांची कमी प्रमाणांत मेळटात. वाक्प्रचारांची अर्थासयत देखी आमकां कोंकणी पाठ्य-पुस्तकां शिवाय हेर कडेन कमीच मेळटा. ताका लागून कोंकणी विद्यार्थ्यांक वाक्प्रचारांची बरी वळख घडना. विद्यार्थ्यांक ही संद कमी प्रमाणांत उपलब्द जाता.

कथाकार आपल्या कथांनी कांय नव्या उतरांचो वापर करता तेन्ना वाचकाक ताचो अर्थ समजना. बोलयेंतलीं आनी प्रादेशीक उतरां शब्दकोशांतय उणीच आसतात. तशें प्रकाशीत पुस्तकांनी हांचे अर्थय दिल्लो आसना. ताका लागून वाचकाक आडखळ येता. देखून कोंकणी कथेंतल्या वेग-वेगळया वाक्प्रचार, म्हणी वा उतरांचे संकलन करून ताची अर्थावणी दिवपा खातीर हो वावर करप गरजेचे थारता.

### 1.3. अभ्यासाचीं उद्दिश्टां

- भाशेंतल्या विवीध खबर नाशिल्ल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवीं उतरांची वळख घडोवप.
- कोंकणींत प्रकाशीत कथांनी आस्पाविल्ल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी नव्या उतरांचें दस्तावेजीकरण करप.
- वाक्प्रचारांचे सरळ आनी आड अर्थ सोदून, स्पश्ट करप.

- कांय उतरां शब्दकोशांत मेळना-तांचो अर्थ आनी देखी दिवप.
- Language Corpus तयार जावपाक मदत करप.

## 1.4. अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा

- कोंकणी साहित्य प्रकरांचो आवाठ व्हड आशिल्ल्यान सगळे साहित्य प्रकार घेवंक ना.
- कोंकणी साहित्य प्रकारांत फक्त कथा साहित्य प्रकार निवडला.
- कोंकणी देवनागरी लिपयेंतले कथा संग्रह वेंचल्यात.
- गोंयात प्रकाशीत जाल्लेच कथा संग्रह वेंचल्यात.
- कथाकारांचो आस्पाव व्हड आशिल्ल्यान नामनेच्या वेंचीक कथाकारांचेच कथा संग्रह घेतल्यात.
- अणकारीत आनी रुपांतरीत कथा संग्रह घेवंक ना.

## 1.5. साहित्य नियाळ

वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवीं उतरां सोदून काडपाचे कार्य पयलेंच नासले तरीय कोंकणी देवनागरी लिपयेंतल्यान प्रकाशीत जाल्ल्या कथा संग्रहांतल्यान वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवीं उतरां संकलीत

करून तांची अर्थावणी देखी सयत दिवपाचो वावर पयलो वयलो आसा. ते खातीर हो विशय निवडटना हें आदीं केल्ल्या खंयच्याय अभ्यासाचेर पुरायपणान निबून रावपाची शक्यताय उणी आसा.

मुखेलतायेन गोंय विद्यापिठांत सादर जाल्ले आदल्यो प्रबंधिका मेळ्ळयो. विशयाक आधारिल्ल्ले, 2016 वर्सा अनुरा नायक ह्या विद्यार्थ्याचो 'वेंचिक कोंकणी म्हणींतल्यान समाज दर्शन' आनी 2017 वर्सा फनिशा डिकोश्टा ह्या विद्यार्थ्याचो 'शणै गोंयबाबाच्या रुपांतरीत नाटकांनी आयिल्ली उतरावळ, वाक्प्रचार आनी म्हणी' हे दोन प्रबंध मेळ्ळे. तांच्या विशयाक धरून तांणी केल्ल्या वावरांत म्हणी आनी वाक्प्रचारांची अर्थावणी मेळटा.

1979 वर्सा उजवाडायल्लें केरळच्या पुरूषोत्तम मल्ल्या हांचें 'कोंकणी म्हणी' हें केरळांत वशिल्ल्या कोंकणी लोकांच्या तोंडांत घोळपी 392 कोंकणी म्हणी आनी वाक्प्रचार हांचो आस्पाव आशिल्लें संकलन मेळटा. 1985 वर्सा रंगनाथ शेषगीरी प्रभू हांच्या मरणा उपरांत केरळ कोंकणी अकोदेमीन उजवाडाक हाडिल्ल्या 'कोंकणी म्हण्या सोरू' ह्या संकलनांत 2058 म्हणी आनी 512 वाक्प्रचारांचो आस्पाव आसा.

1995 वर्सा उजवाडाक आयिल्लें 'कोंकणी म्हण्यो' हें शांता सुखटणकर  हांचे कोंकणी म्हणी, वाक्प्रचार आनी तांचो वापर हांचे हें संकलन. हातूंत 225 वयर कोंकणींतल्यो कारवारी मोडींत म्हणी

आनी वाक्प्रचार मेळटात. ह्याच वर्सा कमला गजानन वाघ हांचे ‘आजीच्या सुपांतील मोती’ उजवाडाक आयलें. ह्या संकलनांत वट्ट 257 कोंकणी म्हणींचो अर्थ मराठींतल्यान दिला.

ह्या काळावेले म्हत्वाचें संकलन म्हळ्यार 1998 वर्सा कमलादेवी राव देशपांडे हांचें दोन भागांनी आस्पाविल्लें‘म्हणी फाटली काणी’ हें संकलन. हातूंत 400 वयर म्हणीचो आस्पाव आसा आनी दर एका म्हणी फाटली काणी ह्या संकलनांत दिल्या. 2003 वर्सा मनोहर पै धुंगट हांच्या ‘कोंकणी म्हणीसागर’ 2100 वयर म्हणी आसात. तशेंच 2016 वर्सा तांच्याच ह्या संकलनाची दुसरी आवृत्ती उजवाडाक आयल्या. हातूंत म्हणींचो अर्थ टिपो आनी वाठारांत घोळपी म्हणींची हेर रुपाय दिल्यात.

2015 वर्सा ‘Konkani Opari’ हें संकलन थॉमस स्टिफन्स कोंकणी केंद्रान उजवाडाक हाडिल्ल्या संकलनांत 855 म्हणींचो आस्पाव आसा. हातूंत रोमी लिपयेंतल्यान कोंकणी म्हण दिवन ताचो अर्थ देवनागरी लिपयेंत दिलां. 2017 वर्सा एडवर्ड दि लिमा हांचो ‘कोंकणी ओपारींचो कोश’ ह्या संकलनांत 2142 ओपारींचो आस्पाव आसा. हातूंत कोंकणींत आनी इंग्लिशींत ओपारींचो अर्थ दिलां, तशेंच हेर भासांतल्या समानार्थी ओपारींचोय आस्पाव आसा.

रजनी भेंब्रे हांचे 2019 वर्सा ‘सदांच जिबेर घोळपी म्हणी’ ह्या नांवाचें 40 पानांचें आनी 360 म्हणी आनी वाक्प्रचार हांचो आस्पाव आशिल्लें एक ल्हानशें संकलन मेळटां. हातूंत तांची आवय सर्गेस्त

लिलाबाय सबनीस हांच्या तोंडात घोळपी म्हणी आसात अशें तांणी नमूद केलां. तशेंच सखाराम शेणवी बोरकार हांणी कोंकणी ‘जाग’, ‘बिम्ब’ म्हयन्याळयांनी आनी ‘अनन्य’ ह्या स म्हयन्याळयांत वाक्प्रचारांचेर बरयिल्ले लेख मेळटात.

कोंकणी म्हणीच्या अभ्यासकांक उपेगी पडपी श्याम वेरेंकार हांचे 1991 वर्सा उजवाडाक आयिल्लें ‘गोंयच्या लोकवेदाचो रुपकार’ आनी जयंती नायक हांचें ‘आमोणें-एक लोकजीण’ हें 1993 वर्सा उजवाडाक हाडिल्लें. ह्या दोनय पुस्तकांनी कोंकणी म्हणी आनी वाक्प्रचार हांचेर अभ्यास केल्लो मेळटा.

## 1.6. सोद वावराची पद्दत

- कोंकणींत प्रकाशीत कथा संग्रहांची रितसर वळेरी करप.
- कथांचे वाचन करून वाक्प्रचार, म्हणी आनी नव्या उतरांचें संकलन करप.
- संकलन केल्ल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी नव्या उतरांचें अर्थ बरोवन, वाक्यांत उपेग करप.
- एकठांय केल्ल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी नव्या उतरांचें वर्गीकरण करप.

## 1.7. प्रबंधिकेची उपयुक्तताय

- मोट्या प्रमाणांत कथांतले वाक्प्रचार, म्हणी आनी नवीं उतरां उपलब्द जातली.
- कोंकणी विद्यार्थ्यांक वाक्प्रचारांचो सरळ आनी आड अर्थ समजतलो.
- कांय उतरां शब्दकोशांत मेळनात तांचे अर्थ देखी सयत मेळटले.
- फुडाराच्या कोंकणी विद्यार्थ्यांक ह्या विशयाचो आदार घेवन सोद वावर करपाक मेळटलो.
- Language Corpus तयार जावपाक उपेगी पडटलो.

## 1.8. प्रकरणाची मांडावळ

1. **विशय प्रवेश**

1.1. प्रस्तावना

1.2. प्रस्न

1.3. अभ्यासाची उद्दिश्टां

1.4. अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा

1.5. साहित्य नियाळ

1.6. सोद वावराची पद्दत

1.7. प्रबंधिकेची उपयुक्तताय

1.8. प्रकरणाची मांडावळ

**2. कथा- व्याख्या, घटक आनी इतिहास**

2.1. कथेची व्याख्या

2.2. कथेचे घटक

2.3. कथेचो इतिहास

2.3.1. कोंकणी कथेचो इतिहास

**3. वाक्प्रचार- व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी**

3.1. वाक्प्रचाराची व्याख्या

3.2. वाक्प्रचाराचें संकलन, अर्थावणी आनी देखी

**4. म्हणी- व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी**

4.1. म्हणीची व्याख्या

4.2. म्हणीचें संकलन- अर्थावणी आनी देखी

## 5. वेंचीक उतरां- संकलन, अर्थावणी आनी देखी

5.1. वेंचीक उतरांचें संकलन- अर्थावणी आनी देखी

## 6. समारोप आनी निश्कर्श

## संदर्भ

# प्रकरण 2: वेंचीक उतरां- संकलन, अर्थावणी आनी देखी

## 2.1. कथेची व्याख्या

कथा हो साहित्याचो एक आदलो साहित्य प्रकार. मिथक, परीकथा, बोधकथा ह्या जायत्या रुपांनी अस्तित्वांत आयल्या. कथा हो एक खास एकमुळो साहित्य प्रकार जातूंत ल्हानशें कथानक, मर्यादीत पात्रां आनी घडणुको हांचे एकजीव जाल्लो गद्य साहित्य प्रकार म्हळ्यार कथा. ताका लघुकथा अशेंय म्हणटात.

चंद्रकांत केणी आपल्या 'साहित्य स्वाध्याय' ह्या पुस्तकांत कथेची व्याख्या विशीं मांडटा: "जें कथन करपासारकें आसत ती कथा. मागीर कथन करपासारको एकाद्रो प्रसंग आसूं, एकाद्रे व्यक्तीचित्र आसूं, एकाद्री याद आसूं, अणभव आसूं, एकाद्री भावना आसूं... जें आमी भोंवतणच्या समाजाक सांगूक सोदतात ती कथा." (केणी, पान क्र. 4)

दामोदर मावजो आपल्या लेखांत जो 'कोंकणी भास साहित्य आनी संस्कृताय' ह्या पुस्तकांत कथेची व्याख्या विशीं मांडटा: "विशिश्ट एकमुळो परिणाम सादपा खातीर ल्हानशें कथानक, मर्यादीत

पात्रां आनी वेंचीक घडणुको हांचे एकजीव निर्मणेचो गद्य साहित्य प्रकार म्हळयार कथा.” (मावजो, पान क्र 224)

कॅंब्रीज शब्दकोश (Cambridge Dictionary) कोशा प्रमाण: “An invented story that is no more than about 10,000 words in length”

(https://dictionary.cambridge.org/dictionary/english/short-story?q=short+stories)

(स्वैर अणकार: सुमार १०,००० उतरां परस चड लांबाय नाशिल्ल्याचो सोद केल्ली कथा)

ना. सी. फडके हांची कथेची व्याख्या अशीं आसा : ‘समकालीन मराठी कथा’ ह्या पुस्तकां प्रमाण दिल्या ती अशीं: “कमीत कमी पात्रे आणि कमीत कमी प्रसंग वापरून थोड्या वेळात परिणामकारक रीतीने सांगितलेली व ऐकणा-याच्या मनावर एकच ठसा उमटविणारी हकिकत म्हणजे लघुकथा होय” (फडके, 7)

(स्वैर अणकार: उण्यांत उण्या प्रमाणांत पात्रां आनी घडणुको वापरून थोड्याच काळांत प्रभावीपणान सांगिल्ली आनी आयकप्याच्या मनांत एकच छाप सोडपी लघुकथा)

## 2.2. कथेचे घटक

समाजांत वा सरभोवतणी कितें घडटा ताचे विशी थोडक्यांत काणी सांगप म्हळ्यार कथा. कथा घडपा खातीर कांय घटकांची गरज आसता. कथेचे कांय मुखेल घटक आसात तें म्हळ्यार कथानक, पात्रां, वातावरण, निवेदन, भास, संवाद आनी संघर्श. एक कथाकार आपले कथेंत ह्या घटकांचो उपेग करता.

### 1. कथानक

कथानक हो कथेचो मुखेल घटक. कथेंतली जी काणी आमकां लेखक सांगता तेच कथानक आसता. ही काणी लेखकाच्या अणभवान आनी कल्पनाशक्तिंतल्यान रचिल्लीं आसता. एक लेखक समाजांत आपणे जे अणभवलां आनी पळयलां तें तो कथानका भितर मांडटा. कथानका शिवाय कथा रचपाकच शकना कारण कथा रचपा खातीर एके प्रकारचे काणयेची गरज आसता. कथानक मुखेलपणांत तीन भागांनी वाटून गेल्ले आसता. ते म्हणल्यार कथेची सुरवात, मध्य आनी शेवट. सुरवातेक कथा कोणा विशीं, कित्या विशीं आसा हें समजता. ताचे उपरांत मदल्या भागांत कथेंतल्यो घडणुको घडटात जातूंत कथेंतलो संघर्श वाचप्यांक समजता. अखेरेक कथेच्या शेवटाक कथेंतलो

संघर्श सोंपता वा ताका एक वेगळें वळण लागून कथा सोंपता. अशें तरेन शेवटाक लेखक वाचप्याक एके प्रकारची देख दिता वा एक विचार मांडटा.

**2. पात्रां**

कथेंतली पात्रां लेगीत कथेचो मुखेल घटक. कथेंतली पात्रां कथेंत जीव हाडपाचें कार्य करता. जेन्ना कथेंत पात्रां घोळटात तेन्ना वाचतल्याक कथेंत वास्तविकता जाणवता. कथेंत एक-दोन मुखेल पात्रां आसतात जंय कथा तांचे भोंवती घोळटा. कथाकार पात्रांची निवड कथेच्या कथानकाक धरून करता. दर एक पात्र एकामेका परस वेगळें आसता. तातूंत दर एका पात्राचो स्वभाव, ताचें कार्य, संघर्श आनी भेस कथेक सोब सारको आसता. कथेंत ज्यो घडणुको घडटात त्यो ह्या पात्रांक धरून आसतात. ह्या घडणुकांतल्यान पात्रांचें पात्रचित्रण जाता. कथेंत पात्रचित्रण अचूक जालें कांय कथेक वाव मेळटां. बरें पात्रचित्रण वाचप्याच्या मनांत घर करता.

**3. वातावरण**

कथेंत कथानक घोळटा आसतना कथेंतलें वातावरण चित्रीत जाता. वातावरणांतल्यान कथेंतलो वेळ, काळ आनी सरभोवतण समजता. कथाकार आपली कथा बरी समजपा खातीर कथा खंय, केन्ना घडटा हाचें विस्तारान वळख घडयता. हातूंत चडश्या वेळार खरेंपण जाणवता. कथेचें चित्र ताच्या

दोळ्या मुखार दिश्टी पडटा. तशेंच कथेच्या घडणुकां प्रमाण कथेचे वातावरण बदलता. बरी घडणूक आसल्यार खोशयेचे वातावरण दिसता जाल्यार वायट घडणुकेंत दुख्खाचें वातावरण दिश्टी पडटा. अशें तरेचे वातावरण एक कथाकार आपले कथेंत तयार करता.

### 4. निवेदन

कथाकार कथा कशीं वाचप्याक सांगता हे म्हत्वाचें थारता. निवेदन दोन प्रकारचे आसता. पयलो पुरूश निवेदन आनी तिसरो पुरूश निवेदन. कथा सांगपा खातीर दोना भितरले एक माध्यम कथाकार वापरता. पयल्या पुरूश निवेदनान एकतर कथाकार आपूण कथेचो भाग जावन आपली कथा सांगता वा आपूण कथेचो भाग जावन दुसऱ्याची कथा आपूण सांगता. तशेंच तिसऱ्या पुरूश निवेदनांत कथाकार आपूण कथेचो भाग जाय नासतना दुसऱ्याची कथा आपूण सांगता.

### 5. संवाद

कथेंत पांत्रां आसलीं कांय तांचें भितर संवांद येताच. संवांद आसलें कांय कथेंत पांत्रांची वास्तविकताय जाणवता. पूण एक-एकदा संवादा शिवाय लेगीत कथा जावंक शकता. आनी केन्नां-केन्नां पुराय कथाच संवादांतल्यांनच तयार जांवक शकता. कथा कशीं प्रयोगशील करप हे बरोवप्या कडेन आसता. संवादांतल्यान पात्राचो स्वभाव, व्यक्तिमत्व समजता. कथेंत संवादांतल्यान विनोद

पळोवपाक मेळटा. तशेंच संवादांतल्यान मनांलें प्रस्न, विचार, उमाळें, खंत उक्तावपाक मेळटां. संवाद ल्हान तशेंच सुटसुटीत आसपाक जाय कारण वाचता आसतना तें खूब व्हड दिसपाक जायना. हातुंतल्यान विशय समजुपाक आडखळ निर्माण जांव येता.

## 6. भास शैली

भास ही कथेच्या घटका भितर आस्पावता. कथेची भास म्हत्वाची. तशेंच त्या त्या वाठारांतली जी बोली आसा ताचोय उपेग कांय वेळा कथाकार करतात. तशेंच कथेंतली भास चड कठीन नासून ती साद्या, सरळ आनी सोप्या उतरांनी आसली म्हणटकीर वाचप्याक ती वाचनू बरी समजपाक मेळटा. तातूंत कसलीच आडखळ येवन खंड पडना. कांय वेळां हेर भाशेचो उपेग जाता. दर एका पात्राची उलोवपाची शैली वेगळी आसता. तातूंत भासशैलीय बदलू शकता. काथाकाराक आपले कथेंत हाचो वापर करपाक मेळटा.

## 7. संघर्श

कथेंत संघर्शाचो वांटो आसप भोव गरजेचो. कारण संघर्शा शिवाय कथेंत रूच येना. कथा संघर्शांतल्यान वचत जाल्यार वाचप्याक ती कथा वाचपाक कशी दिसता आनी आपोआप ओड निर्माण जाता. बरोवप्यान आपली कथा संघर्शमय रितीन रचली जाल्यार कथेक वाव मेळटा. हो संघर्श म्हळयार

एका प्रकारचे दुख्ख, पिडा वा विरोध आसूं शकता. जो दोन मनशां मदीं, दोन पंगडां मदीं वा स्वताच्याच मनां भितरलोय संघर्श आसूं शकता. कथेंत सघर्श सुरवातेक चालू जावन शेवटा मेरेन चलता. कांय वेळां ताचो शेवट बरें घडणुकेंत जाता. संघर्श कशें तरेन दाखोवप आनी ताचो शेवट करप हे बरोवप्याच्या कलेचेर निर्भर आसता.

## 2.3. कथेचो इतिहास

कथेची सुरवात लोककाणयांतल्यान जाली. जंय पयलीच्या काळांत साहित्य बरोवन दवरपाची परंपरा नाशिल्ली. पूण पिळग्यान पिळग्यो ह्यो काणयो लोकांमदीं घोळत आशिल्ल्यो. आख्यायिका, लोककथा, परीकथा, दंतकथा अश्यो वेग-वेगळया प्रकारच्यो काणयो पिळग्यान पिळग्यो घोळत रावल्यो. हातूंत कांय नामनेचे संस्कृत भाशेच्यो काणयो म्हळयार रामायण, महाभारत, पंचतंत्र, हितोपदेश, कथासरित्सागर, आदी आस्पावतात. अश्योच काळांतरान नव्यो कथा रचपाक सुरू जायत रावल्यो आनी कथा हो साहित्य प्रकार बरोच नामनेक पावलो. भारतीय कथाकारां मदीं कांय नामनेचें कथाकार म्हळयार रवींद्रनाथ टागोर, मुंशी प्रेमचंद, शरदचंद्र चॅटर्जी, आर. के. नारायण, जयशंकरप्रसाद, आदी.

## 2.3.1. कोंकणी कथेचो इतिहास

कोंकणी कथेचो इतिहास हो पुर्तुगेज गोंयांत येवचें पयलीं सुरू जाल्लो. कारण कृष्णदास शामा हांणी रामायणांतल्यो कथा कोंकणींत बरयल्ल्यो अशें इतिहास सांगता. रामायण आनी महाभारत हांचेर आदारून बरयिल्ल्या काणयांचें बाड पुर्तुगालच्या ब्रागा शारांत मेळटात. पोर्तुगेज मिशनऱ्यांनी ह्या काणयांचें लिप्यांतर रोमी लिपींत केल्ल्याचे उल्लेख मेळटात. तशेंच 'उदेंतेचें साळीक' नांवाचे रोमी लिपयेंतलें नेमाळें 1889 वर्सा सावन एदुआर्द जुजे ब्रुन द सोज हांणी उजवाडाक हाडिल्लें जातूंत कांय कोंकणी कथा छापून येताल्यो.

सगळयांत पयलीं आर्विल्ल्या कोंकणी कथेची सुरुवात शणै गोंयबाबान 'म्हजी बा खै गेली?' कथेंतल्यान सुरवात केल्ली अशें म्हणू येता. तांचो 1928 वर्सा 'गोमंतोपनिषद खंड 1' हें पुस्तक उजवाडाक आयलें जातून एकूण 5 कथा आस्पावल्यात. त्यो म्हळयार 'म्हजी बा खैं गेली?', 'वासशणैली पोपाय', 'बाबुमामालो पणस', 'पितुबाबालो तांब्यापटो', आनी 'खर्णवीर'. ताच्या उपरांत 1935 वर्सा मुंबय उजवाडाक आयिल्ल्या 'ओंवळां' नांवाच्या कथा झेल्यांत मंगळूर वाठारांतल्या 14 बरोवप्यांच्यो कथा आस्पावतात. तशेंच जायत्या नेमाळयांनी कथा उजवाडाक

आयल्यो. जश्यो ‘साद’, ‘मीर्ग’, ‘साळीक’, ह्या नेमाळ्यांतल्यान जायत्या कथाकाराच्यो कथा उजवाडाक आयल्यात.

1955 वर्सा चंद्रकांत केणी हांचो ‘भूंयचाफी’ संपादीत कथाझेलो उजवाडाक आयलो. गोंयच्या स्वातंत्र्या पयली आनी उपरांत लेगीत सातत्यान अशे कोंकणी कथा बरोवपी म्हूण नांव मेळटा ते चंद्रकांत केणीचे. ‘धर्तरी आजून जियेताली’ (1964), ‘आषाढ पांवळी’ (1973), ‘एकलो एकसुरो’ (1973), ‘तरतरेची सवंगां’ (1973), ‘अळमी’ (1975), ‘व्हंकल पावणी’ (1985) ‘जंय वता थंय’ (1994), ‘मेघ मल्हार’ (1994) अशे कांय कथा संग्रह मेळटात. ‘व्हंकल पावणी’ ह्या कथा संग्रहाक तांकां 1988 वर्साचो साहित्य अकादमीचो पुरस्कार फावो जाला. जाल्यार हालींच्या काळा वेले कथा संग्रह म्हळयार ‘बहुरत्ना वसुंधरा’ (2004), कथा भारती (2006), ‘दवा थेंब’(2007) आनी ‘रूपां आनी रुपडीं’ (2007).

दामोदर मावजो कोंकणींतले दर्जेदार कथाकार. तांच्या कथांनी क्रिस्तांव समाजांतल्या जिविताचेर उजवाड घाल्लो दिश्टी पडटात. आयज मेरेन तांणी ‘गांथन’ (1971), ‘जागरणां’ (1975), ‘रूमडफूल’ (1989, 2001), ‘चित्तरंगी’(1995), ‘भुरगीं म्हगेलीं तीं’ (2001), ‘सपन मोगी’ (2014) आनी ‘तिश्टावणी’ (2020) अशे कथाझेले बरयल्यात. त्याच काळांत विनोदी स्वरुपाच्यो कथा

बरोवपी अ.ना. म्हांबरो. तांचे कथा संग्रह उजवाडाक आयल्यात ते म्हळ्यार ‘प्रसादाफूल’ (1971) आनी ‘पणजी आतां म्हातारी जाल्या’ (1985). ‘पणजी आतां म्हातारी जाल्या’ ह्या कथा संग्रहाक तांकां 1987 वर्साचो साहित्य अकादमीचो पुरस्कार फावो जाला.

पुंडलीक नारायण नायक हांच्या कथांनी गांवगिऱ्या वाठारांतल्या लोकांचे प्रस्न, गरीबांचे प्रस्न पळोवपाक मेळटात. आयज मेरेन तांचे तीन कथाझेले उजवाडाक आयल्यात. ‘पिशांतर’ (1977), ‘मुठय’ (1977) आनी ‘अर्दूक’ (1981) हांचो आस्पाव जाता. ‘समकालीन कोंकणी लघुकथा’ संपादीत केल्लो कथा झेलो 1998 वर्सां उजवाडाक आयला. ताच्या उपरांत एन. शिवदासाचे कथा संग्रह उजवाडाक आयले. गळसरी’ (1981), ‘महारूख’ (1999), आनी ‘भांगरसाळ’ (2003). ‘भांगरसाळ’ ह्या कथा संग्रहाक तांकां 2005 वर्सा साहित्य अकादमी पुरस्कार मेळ्ळा. तशेंच ‘शिवकथा’ (2016) हो कथा संग्रह हाली उजवाडाक आयला. गजनान जोग हांणी ‘रुद्र’ (1986), ‘सोद’ (1990) आनी ‘खांद आनी हेर कथा’ (2014) हे कथा संग्रह रचल्यात. तांच्या कथांनी चडशे समाजाचे चित्रण दिश्टी पडटा.

कोंकणी कादंबरी आनी कोंकणी कथा ह्या दोनय साहित्य प्रकारांत नांव मेळयिल्लें लेखक आसात ते म्हळ्यार देविदास कदम आनी महाबळेश्वर सैल. देविदास कदमान ‘कांदळां’(1996) आनी

'जितें मर्ण' (2013) अशे दोन कथा संग्रह उजवाडाक हाडल्यात. जाल्यार महाबळेश्वर सैलाचें आयज मेरेन 'पलतडचे तारू' (1989), 'तरंगां' (1991), 'बायनेट फायटींग' (2005), 'निमणो अश्वत्थामो' (2009), आनी 'दोन मुळांचे झाड' अशें एकूण5 कथा संग्रह उजवाडाक आयल्यात. सैलाच्या कथांनी तांची सैनीकी जीण तशेंच कारवार वाठारांतली जीण झळकता. 'तरंगां' ह्या कथा संग्रहाक तांकां 1993 वर्सा साहित्य अकादमी पुरस्कार फावो जाला.

कोंकणी कथा बरोवप्यां मदीं शीला कोळंबकारांचे नांव येताच.'ओली सांज' (1973), 'भुंयचाफी' (1994), 'गॅरे' (2007), आनी 'कथाशील' (2007) हें तांचें चार कथा संग्रह उजवाडाक आयल्यात. तशेंच मीना काकोडकारान 'दोंगर चंवल्ला' (1976), 'सपनफुलां' (1990) आनी 'आमी' (2001) अशें एकूण तीन कथा संग्रह उजवाडाक हाडले. 1991 वर्सां तांकां सपनफुलां कथा संग्रहाक साहित्य अकादमी पुरस्कार फावो जाला. जयमाला दणायत हाणी 'कवासो' (1978), आनी हालीसराक 'सांज' (2014) आनी 'झोंपाळो' (2016) हे तीन कथा संग्रह उजवाडाक हाडले.

'पसय' (1982) आनी 'दुर्गावतार' (2009) सारकिले कथा संग्रह उजवाडाक हाडून हेमा नायकान बायलांच्या प्रस्नांचेर तशेंच सामाजीक प्रस्नांचेर हात घाल्लो दिश्टी पडटा. ताच्या उपरांत 'गर्जन' (1989) हो जयंती नायकाचो कथांझेलो उजवाडाक आयलो. उपरांत तांचेच 'अथांग' (2002,

साहित्य अकादमी पुरस्कार- 2004) आनी ‘मातयेची व्यथा’ (2017) हे कथा संग्रह उजवाडाक आयल्यात. तशेंच ज्योती कुंकळकारान ‘चित्रांतलें वादळ’ (1993), ‘कन्यादान’ (2004), ‘कथा करंड’ (2011) आनी ‘साद सखये’ (2012) अशे एकूण चार कथा संग्रह उजवाडाक हाडले.


तशेंच हेर कांय कथाकारांनी आपली वळख कोंकणी कथेच्या इतिहासांत घडयल्या. शशांक शिरोडकार‘परीघ’ (साहित्य अकादमी पुरस्कार-2003), प्रकाश पर्येकार ‘वर्सल’ (साहित्य अकादमी पुरस्कार-2024), वसंत भगवंत सावंत, अरुण सिंगबाळ, माया खरंगटे, भालचंद्र गांवकार, दीपा मुरकुंडे, रामनाथ गावडे, सुधा खंरगटे, सुजाता सिंगबाळ, तुकाराम शेट, दुर्गादास गावडे, सुरेखा तोटेकार, अत्च्युत तोटेकार, नरेश नायक, वामन टोकेकार, शर्मिला विनायक प्रभू, मधुसूदन जोशी, कुमूद नायक, जोफा गोन्साल्वीस, आदी. ह्या कथाकारांनी वेग-वेगळ्या विशयांच्यो कथा बरयल्यात आनी ही परंपरा मुखार व्हेल्या. ह्याच खातीर कोंकणी कथेक बरो फुडार आसा अशें म्हणू येता.

# प्रकरण 3: वाक्प्रचार- व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी

प्रस्तूत अभ्यास हो कोंकणींत प्रकाशीत जाल्ल्या कथा संग्रहांतले वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी आनी तांकां संबंदून देखी खातीर वाक्या आसात. हे खातीर पयलीं कोंकणी भाशेंतल्या कथा संग्रहांची वळेरी केली. हातूंत नामनेचे कथाकार, तशेंच जांकां आदी तांच्या कथा संग्रहां खातीर पुरस्कार फाव जाल्यात आनी कांय नवीन कथाकारांची हे वळेरेंत निवड केल्या. अशा एकूण 60 कथा संग्रहांची वळेरी केल्या आनी दर एका लेखकान उजवाडाक हाडिल्ले कथा संग्रह आनी एकूण कथा संग्रहांची टक्केवारी काडल्या (तकटो क्र.3.1.).

टक्केवारी प्रमाण कथा संग्रहांची निवड करपाक मदत जाली. मुखार ह्या कथा संग्रहांची वळेरी दशका प्रमाण केली. हाचे कारण म्हणल्यार दर एका दशकांत कितले कथा संग्रह उजवाडाक आयले हे पळोवप आनी दुसरें अभ्यासा खातीर दशका प्रमाण तांची निवड करप. हें कार्य तांच्या प्रकाशन वर्सां पळोवन केलां. अशें एकूण 25 कथा संग्रह निवडले. (तकटो क्र. 3.2.).

## तकटो क्र. 3.1.: प्रकाशीत जाल्ल्या कोंकणी कथा संग्रहांचो तकटो



## तकटो क्र. 3.2.: दशका प्रमाण कथा संग्रहांची वळेरी

| | 1960-1970 | 1970-1980 | 1980-1990 | 1990-2000 | 2000-2010 | 2010-2020 |
|---|---|---|---|---|---|---|
| 1. | | गांथन- दामोदर मावजो (1971) | रुमडफूल- दामोदर मावजो (1989) | भुरगीं म्हगेली तीं- दामोदर मावजो (1995) | | तिश्ठावणी- दामोदर मावजो (2020) |
| 2. | धर्तरी अजून जियेताली - चंद्रकांत केणी (1964) | | | | व्हंकल पावणी- चंद्रकांत केणी (2006)<br><br>रुपां आनी रुपडी- चंद्रकांत केणी (2007) | |
| 3. | | ओली सांज- शीला कोळंबकार (1973) | | | कथाशील - शीला कोळंबकार (2007) | |
| 4. | | पिशान्तर- पुंडलीक नायक (1977) | | | | |
| 5. | | | पसय- हेमा नायक (1982) | | | |
| 6. | | | पणजी आतां म्हातारी जाल्या- अ.ना. म्हांबरो (1985) | | | |
| 7. | | | सपनफुलां- मीना काकोडकार (1990) | | | |

| | | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|---|
| 8. | | | | तरंगां- महाबळेश्वर सैल (1991) | | |
| 9. | | | | चित्रांतलें वादळ – ज्योती कुंकळकार (1996) | | |
| 10. | | | उमजणी- दीपा मुरकुंडे (1998) | | | |
| 11. | | | | | अंदल्ले उस्वास- भालचंद्र गांवकार (2001) | |
| 12. | | | | | अथांग- जयंती नायक (2000) | |
| 13. | | | | | घोटेर- माया खरंगटे (2007) | ओली फांतोड- माया खरंगटे (2019) |
| 14. | | | | | गांवमन - नरेश नायक (2010) | |
| 15. | | | | | निर्णय-जोफा गोन्साल्वीस (2010) | |
| 16. | | | | | | खांद आनी हेर कथा- गजानन जोग (2014) |
| 17. | | | | | | शिवकथा- एन. शिवदास (2016) |
| 18. | | | | | | झोंपाळो- जयमाला दणायत (2016) |

## 3.1. वाक्प्रचाराची व्याख्या

शरदचंद्र शणै आपल्या ‘लोकधन’ ह्या पुस्तकांत वाक्प्रचाराची व्याख्या विशीं म्हणटा: “वाक्प्रचार म्हळ्यार एक तरांचे भाषालंकार जे वाक्यांक अचूक अर्थसंपुष्टि दितात.” (शणै, पान. क्र.7)

उदय नारायण तिवारी ‘हिंदी मुहावरे और लोकोक्ति’ कोशांत वाक्प्रचाराची व्याख्या विशीं म्हणटा: “हिन्दी-उर्दू में लक्षण अथवा व्यंजन द्वारा सिध्द वाक्य को ही ‘मुहवरा’ कहते हैं|” (तिवारी, पान क्र 9)

(स्वैर अणकार- हिंदी-उर्दू भाशेंत, प्रतीक वा उपमानांक स्थापन केल्ल्या वाक्याक ‘वाक्प्रचार’ अशें म्हण्टात.)

ऑक्सफर्ड शब्दकोश (Oxford Dictionary) कोशा प्रमाण: “A group of words whose meaning is different from the meanings of the individual words.”

(https://www.oxfordlearnersdictionaries.com/definition/english/idiom?q=Idioms)

(स्वैर अणकार: ज्या शब्दांचो अर्थ वैयक्तीक उतरांच्या अर्थापरस वेगळो आसता.)

कँब्रीज शब्दकोश (Cambridge Dictionary) कोशा प्रमाण: “A group of words in a fixed order that has a particular meaning that is different from the meanings of each word on its own.”

(https://dictionary.cambridge.org/dictionary/learner-english/idiom?q=idioms)
(स्वैर अणकार: दर एका उतराच्या स्वताच्या अर्थां परस वेगळो असो विशिश्ट अर्थ आशिल्लो थारावीक क्रमांतलो शब्दांचो गट.)

### 3.2. वाक्प्रचाराचें संकलन, अर्थावणी आनी देखी

**आ**

1. आडसाच्या चक्रांत घुस्पप- संकटांत सापडप

वाक्य- भायल्या देशांत गेल्लो सुरेश आडसाच्या चक्रांत घुस्पलो.

2. आंग चोरून बसप- भियेवन बसप

वाक्य- टी.व्हीचेर व्हड जनावर पळोवन धाकलें बाय आंग चोरून बसले.

3. आंग झाडप- जबाबदारेंतल्यान पयस वचप

वाक्य- भुरग्यांची जबाबदारी घेवची पडटा म्हूण मधून आंग झाडले.

4. आंगार धांवून वचप- मारूक वचप

वाक्य- गाडयेक गाडी आपटली म्हूण ताचे चालक एकमेकाच्या आंगार धांवून गेले.

5. आंगार शिरशिरून कांटो उबो रावप- भंय दिसप

वाक्य- मानग्याक पळोवन कोल्याच्या आंगार कमलाच्या कांटो उबो रावलो.

6. आंबट तोंड करप- आवडप ना

वाक्य- म्हाका पयलें इनाम मेळळे म्हूण सुनिताचे तोंड आंबट जाले.

7. आपल्या पांयार उबें रावप- स्वावलंबी जावप

वाक्य- पुनम आतां शिकून आपल्या पांयार उबें रावले.

8. आवाज कांपप- भंय दिसप

वाक्य- जुविजा म्हऱ्यांत उलोवपाक ताचो आवाज कांपलो.

9. आशेचें फूल फुलप- आशा दिसप

वाक्य- वाडदिसाच्यो भरपूर चॉकलेटी मेळटल्यो म्हूण भुरग्यांच्या तोंडार आशेचे फूल फुल्लां.

**इ**

10.इल्लेशें तोंड करप- खंती जावप

वाक्य- गोपाळाक पगार उणो मेळ्ळो म्हूण ताणें तोंड इल्लेशें केलें.

11.इश्ट पातळ जावप- इश्टागत कमी जावप

वाक्य- परिक्षेंत नक्कल करपाक मदत करुंक ना म्हूण इश्ट पातळ जालो.

**उ**

12.उजरावन काडप- तापोवन काडप

वाक्य- काकीन बंटी कळाव करून आयलो म्हण बरोच उजरावन काडलो.

13.उज्यांत उडी घेवप - त्रासांत पडप

वाक्य- कामाचो भार आपल्याचेरच घेवन प्रमोदान उज्यांत उडी घेतल्या.

14.उदक मरप- उदक नासप

वाक्य- फाटल्या पंदरा दीस पावस नाशिल्ल्यान शेतांतले उदक मेलां.

15.उपकाराचें वजें माथ्यार मारप- उपकारांत दवरप

वाक्य- शेवतुल्यान म्हजेर खूब उपकार करून उपकाराचें वजें म्हज्या माथ्यार मारले.

16.उतरां ओंठा भायर सरप ना- उलोवप ना

वाक्य- शांतिची हीं अवतिकांय पळोवन उतरां ओंठा भायर सरना जाली.

17.उतरां कानांत रिगप- आयकप

वाक्य- म्हजी तुस्त करपी उतरां जेन्ना म्हज्या कानांत रिगतात तेन्ना म्हाका खोस भोगता.

18.उतरां मनाक तोंपप- वायट दिसप

वाक्य- मांयची उतरां सामकी म्हज्या मनाक तोंपली.

19.उतरांक धार येवप- मनाक लागता तशें उलोवप

वाक्य- उलयता उलयता समित्रेच्या उतरांक धार आयली.

20.उतराक वजन हाडप- मोलाचें उलोवप

वाक्य- आजयेच्या उतराक वजन आसता.

21.उतरार घट रावप- उलयल्ले उतर खरें करून दाखोवप

वाक्य- कर्जाची परत फेड करच्या वेळार तो उतरार घट रावलो.

22.उतरांनी मारप- कठोर उतरां उलोवप

वाक्य- काकीबायक मनशां उतरांनी कशीं मारप हे बेस बरें जाणा.

23.उतरांनी सट जावप- सादूर जावप

वाक्य- बाबाच्या उतरांनी आई सट जाली.

24.उलोवणे कानामनार घेवप ना- उलोवण्याक म्हत्व दिवप ना.

वाक्य- आईचें उलोवणे हांव केन्नां कानामनार घेना.

25.उलोवणें तकलेंत रिगप- उलोवणें समजप

वाक्य- बाईचें उलोवणें मधुच्या तकलेंत केन्ना रिगच ना.

26.उलोवप तकले वेल्यान वचप- समजप ना

वाक्य- टिचरीचे उलोवणे गणुच्या तकले वेल्यान गेले.

**क**

27.कच्च करून आंग काडप- भियेवप

वाक्य- तुवें अचकीत फाटसून उलो मारलो तेन्ना हांवें कच्च करून आंग काडलें.

28.कडकडो सुटप- भंय दिसप

वाक्य- दोळ्या सामकार जेन्ना अचकीत मोठो सोरोप दिसलो तेन्ना म्हाका कडकडो सुटलो.

29.कट्टी हातांत येवप- गरीब जावप

वाक्य- आबू भायर पडिल्ल्यान घरच्यांच्या हातांत कट्टी आयली.

30.कपलाक आठी घालप- नाराजगी व्यक्त करप/ चितनेन पडप

वाक्य- सोयरी आमगेर आयल्यांत म्हूण एकमुळ्या दादान कपलाक आठी घाली.

वाक्य- दादाच्या फुडाराचो विचार करून बाबान कपलाक आठी घाली.

31.कपलाक मिरी घालप- तिडक येवप

वाक्य- म्हज्या हुतहुतेपणां खातीर आवयन कपलाक मिरी घाली.

32.कपलार हात मारप- नशिबाक दोश दिवप

वाक्य- बाबुची मस्तेपणा पळोवन आवयन कपलार हात मारलो.

33.कपलाशीर टायट जावप- तिडक येवप

वाक्य- विद्यार्थी हाफ तिकेट दितात म्हूण ह्या कंडक्टराची कपलाशीर टायट जाता.

34.कळो फुलप- गुरवार जावप

वाक्य- शोभागेर खूब वर्सांनी कळो फुल्लां.

35.कांट्याकुट्यांच्या झोपांत सांपडप- संकटांत सांपडप

वाक्य- कोणाचो सांगात नाशिल्लो मधू कांट्याकुट्यांच्या झोपांत सांपडलो.

36.कान सुपायेदे जावप- आयकुपाक आतूर जावप

वाक्य- काकीच्यो खबरो आयकुपाक काकाचे कान सुपायेदे जाले.

37.कानाक पीळ घालप- परत तीच चूक करप ना

वाक्य- ताचे आनीक वाटेक वचप ना असो हांवें कानाक पीळ घाला.

38.कानार घालप- गजाल कळोवप

वाक्य- रघलो खंयचींय गजाल रोखड्या रोखडो भाटकाराच्या कानार घालता.

39.कान गप्प जावप- आयकप ना

वाक्य- भुरग्यांच्या बोवाळांत बाबाचे कान गप्प जाले.

40.कानार पडप- आयकप

वाक्य- होनिबायली उतरां म्हज्या कानार पडली.

41.काळजाक दाग दिवप- वायट दिसपा सारकें उलोवप

वाक्य- धाकल्या भावाची उतरां काळजाक दाग दिवन गेली.

42.काळजाक पीळ घालप- दु:ख सोंसप

वाक्य- आपल्या भुरग्याक खूब कितें दिवचें कशें दिसता पूण आस्पत नाशिल्ल्यान काळजाक पीळ घालचो पडलो.

43.काळजांत धस्स जावप- अजाप जावप

वाक्य- गणपताची ही अवतिकाय पळोवन काळजांत धस्स जाले.

44.काळजांत धापून दवरप- गुपीत दवरप

वाक्य- कामिनीक खंयचीच गजाल काळजांत धापून दवरूंक जमना.

45.काळजांत सूय तोंपिल्ले भशेन जावप- वायट दिसप

वाक्य- जिवाभावाचो इश्ट जेन्ना पयस जाता तेन्ना काळजांत सूय तोंपिल्ले भशेन जाता.

46.काळजावेलें ओजें देवप- जबाबदारेंतल्यान मुक्त जावप

वाक्य- बँकेच्या रिणांतल्यान सुटले म्हूण परेशाच्या काळजावेलें ओजें देवलें.

47.काळीज कोंचून काडप- वायट दिसपा सारकें उलोवप

वाक्य- वायट उतरां दिवन दॉनान माय-पायचें काळीज कोंचून काडलें.

48.काळीज उक्तें करप - मनांतली गजाल सांगप

वाक्य- शेंवतुले आबोल्याकच आपले काळीज उक्तें करून सांगता.

49.काळीज घट जावप- हिंमती जावप

वाक्य- घोव मरतकीर मारियान आपले काळीज घट केलें.

50.काळीज जड जावप- खूब दु:ख जावप

वाक्य- रमेशाचे हाल पळोवन काळीज जड जालें.

51.काळीज व्हड आसप- कोणाकय मदत करपी आसप

वाक्य- भाटकाराले काळीज व्हड आसा.

52.काळीज रडप- वायट दिसप

वाक्य- म्हाका सोडून दादान म्हज्या धाकले भयणीक खोमशी हाडली म्हूण म्हजें काळीज रडले.

53.काळीज रक्तबंबाळ जावप- खूब वायट दिसप

वाक्य- मेल्ली माजरां पिलां पळोवन काळीज रक्तबंबाळ जालें.

54.काळीज हल्के जावप- जिवाक बरें दिसप

वाक्य- मनांतली गजाल सांगली म्हूण कळीज मात्शे हल्के जालें.

55.काळोख खावंक येवप- काळखान रावं नज जावप

वाक्य- मंगल अकाक काळोख खावंक येवंक लागलो.

56.कावळो आफुडप- वासपूस करप ना / मासीकपाळी

वाक्य- मोहनाच्या सभावाक लागून आयज कोणे कावळो आफुडलो ना.

वाक्य- काकी एके देगेक कित्याक बसल्या म्हूण विचारल्यार तिणे आमकां सांगले, आपणाक कावळो आफुडलो म्हूण.

57.कूस उजवप- गुरवार जावप

वाक्य- खूब वर्सांनी वासंतीची कूस उजवली.

58.कूस फळप ना- भुरगीं जावप ना

वाक्य- प्रमिलाक ल्हान भुरग्यांची खूब ओड पूण ताची कूस केन्नाच फळ्ळी ना.

59.केंसान गळो कापप- घात मारप

वाक्य- धाकून भिकूचो केंसान गळो कापलो.

60.कोनशाक खुंटो जावप- एका जाग्यार थीर रावप

वाक्य- शालग्या, कोनशाक खुंटो जावन शें रावलां?

**ख**

61.खांदे बागवत वचप- आर्थीक परिस्थिती बिकट जावप

वाक्य- बापायचें काम जेन्ना बंद जाले तेन्ना तांचे खांदे बागवले.

62.खोशयेक शीममेर उरली ना- खूब उमेद जावप

वाक्य- वर्गांत पयलो नंबरान पास जालो म्हूण घरच्यांचे खोशयेक शीममेर उरली ना.

63.खोशयेन पिसो जावप- खूब खोस जावप

वाक्य- धूव धाव्वेचे परिक्षेंत पयलें आयले म्हूण बापूय खोशयेन पिसो जालो.

**ग**

64.गजाल फाफडून उडोवप- गजाल आयकप ना

वाक्य- ही इतली व्हड गजाल तूं फाफडून उडोवंक शकना.

65.गळ्यांत पडप- फाटीक लागप

वाक्य- बेबदो शामू शालग्याच्या गळयांत पडलो.

66.गांठ पडप- भेट जावप

वाक्य- श्याम आनी गिताची आज देवळांत गांठ पडली.

67.गालार लाली येवप- लज दिसप

वाक्य- सोयरीक थरिल्ल्यान सरिताच्या गालार लाली आयली.

68.गांवार फांक पडप- हेरांक गजाल कळप

वाक्य- शोबन घरां परत आयलें म्हूण गांवार फांक पडली.

69.गाळींचो पावस शिंवरप- खूब गाळी मारप

वाक्य- सद्दा उठून बेबदो नागेश गाळींचो पावस शिंवरता.

70.गुन्यांव पोटांत घालप- गुन्यांव लिपोवप

वाक्य- आपलोच धाकलो भाव म्हण कमलाकांतान ताचो गुन्यांव पोटांत घालो.

## घ

71.घर माथ्यार घेवप- आकांत करप

वाक्य- ताच्या वाट्याचो केकिचो कुडको खालो म्हूण धाकले भयणीन घर माथ्यार घेतले.

72.घर भरून दार ओतप - खूब समृद्धताय आसप

वाक्य- निलिमा घरांत आयलें आनी आमचें घर भरून दार ओतलें.

73.घरांत पाळणें धोलप- घरांत भुरगें जावप

वाक्य- देसायाच्या घरांत खूब वर्सांनी पाळणें धोलपाक लागले.

74.घरांतलें वादळ निवळप - घरांतली झगडी थांबप

वाक्य- बाबा घरांत आयलो म्हणटकीर घरांतले वादळ आपसुकच निवळटा.

75.घराचो हुंबरो हुपप- घरांतल्यान सासणाचे भायर सरप

वाक्य- आनी अखेरेक सुनितान त्या घराचो हुंबरो हुंपलो.

76.घायार मीठ चोळप- दुख्खांत आनीक चड त्रास दिवप

वाक्य- सर्तीत वांटो घेवपाक मेळना म्हूण घायार मीठ चोळपाचे काम लतान केले.

**च**

77.चण्या झाडार चडोवप- फटयाची तुस्त करप

वाक्य- तूं म्हाका बेश्टोच चण्या झाडार चडोवं नाका.

78.चामडी झडप- जाणटेपण

वाक्य- वय जालो म्हणटकीर मनशाची चामडी झडटा.

79.चार पयशे मेळप - थोडें पयशे मेळप

वाक्य- काम केल्यारच चार पयशे मेळटात.

80.चार पावलां उखलप- चलप/ कश्ट घेवप

वाक्य- चार पावलां उखल्ली म्हणटकीर म्हाका धांप मारता.

वाक्य- शेतांत आयज चार पावलां उखल्ली म्हूण गोटे घरांत आयलें.

81.चार पुस्तकां शिकप- शिक्षीत आसप

वाक्य- चार पुस्तकां शिकलो म्हूण संवसार बरो करपाक पावलो.

82.चित्त थाऱ्यार नासप- लक्ष नासप

वाक्य- तुजें आयज चित्त थाऱ्यार ना शें दिसता.

83.चूक पोटांत घालप - चुकी खातीर माफ करप

वाक्य- हांव सगळें विसरिल्ले म्हूण तुज्यो चुको पोटांत घातल्यो.

**ज**

84.जमनीर कोसळप - घुंवळ येवन जमनीर पडप

वाक्य- ताचें म्हण्णे पुराय जावचें पयलींच हांव जमनीर कोसळ्ळें.

85.जातीपातीचो रोग आसप- जाती धर्मा मदीं भेदभाव करप

वाक्य- ताईबायक मात जातीपातीचो रोग भरपूर आशिल्लो.

86.जाळांत फारवप- फसोवप

वाक्य- पेट्रासीयाक पेट्रीक आपल्या जाळांत कसोच फारोव शकना.

87.जिवार येवप- काम करपाची इत्सा ना जावप

वाक्य- आयज काम करपाक जिवार येता.

88.जिबेक कसलीच लगाम नासप- फटकळ आसप

वाक्य- होनीबायच्च्या जिबेक कसलीच लगाम ना.

89.जिबेर उतरां फुटप ना- उलोवपाक कठीन जावप

वाक्य- पुलिसा कडेन उलोवपाक जिबेर उतराच फुटना जाली.

90.जीव खावप- वाज हाडप

वाक्य- सुमन आपलो जीव खाता अशें सुदेश म्हणटा.

91.जीव उंवाळून उडोवप- खूब माया करप

वाक्य- शांतनून सायलीचेर सामको जीव उंवाळून उडयिल्लो.

92.जीव मुठींत घेवन वचप- भियेवन वचप

वाक्य- ह्या अरण्यांतल्यान वाट काडप म्हळ्यार जीव मुठींत घेवन वचप.

93.जोतें झरोवप- कश्ट करप

वाक्य- सरकारी नोकरी मेळोवपा खातीर हांवे म्हजीं जोतीं झरयल्या.

94.जोत्याचो प्रसाद मेळप- मार पडप

वाक्य- लोकां कडल्यान चोराक जोत्याचो प्रसाद मेळ्ळो.

**त**

95.तकली जाग्यार नासप- लक्ष नासप

वाक्य- सकाळ सावन म्हजी तकली जाग्यार ना.

96.तकली तापप- तिडक येवप

वाक्य- शांताबायक पळोवन शांतारामाची तकली ओगीच तापता.

97.तकली थंड जावप- शांत जावप

वाक्य- शीतपेय पितकच मंगलाची तकली थंड जाली.

98.तकली पिकार जावप- बेजार जावप

वाक्य- शेतांत गोरवां येवन सगळ्या शेताची नासाडी केली म्हूण शेतकाऱ्याची तकली पिकार जाली.

99.तकली फुटचे कडेन पावप- पिकार जावप

वाक्य- इतलो अभ्यास करून आतां म्हजी तकली फुटचे कडेन पावतली दिसता.

100. तकलेंतली शीर तुटप- तिडक येवप

वाक्य- सदांच उदारिचे सामान व्हरता म्हण पसरकाराची तकलेंतली शीर तुटली.

101. तान भूक न्हिवप– समाधान मेळप

वाक्य- मना सारकें सजयल्ले घर पळोवन घरांतल्यांची तान भूक न्हिवली.

102. ताव मारप- येतिश्ट खावप

वाक्य- नुस्त्याच्या जेवणाचेर हांवें ताव मारलो.

103. तालार नाचप- सांगता ते आयकप

वाक्य- टिचर भुरग्यांच्या तालार नासता.

104. तिखट नदरेन पळोवप- तिडकीन पळोवप

वाक्य- दादा वयनीचे कांय आयकना म्हूण ताका तीं तिखट नदरेन पळयताली.

105. तिडक मस्तकाक वचप- खूब तिडक येवप

वाक्य- तो नदरेक पडल्यारच फिलिसाची तिडक मस्तकाक मारली.

106. तोंड काळें पडप- दुस्वास दिसप

वाक्य- म्हाका पयलें इनाम मेळ्ळे म्हूण सगळ्यांची तोंडं काळी पडली.

107. तोंड उक्तें घालून पळोवप- अजापान पळोवप

वाक्य- म्हजो नाच पळोवन सगळीं जाणा तोंड उक्तें घालून पळयत रावली.

108. तोंड उरप ना- लज दिसप

वाक्य- तुज्या ह्या कर्तुबा खातीर म्हाका आनीक तोंड उरले ना.

109. तोंड खर्र करून देंवप- निरशेवप

वाक्य- आईन म्हाका लाडू करता म्हूण सांगिल्ले पूण अखेरेक करूकच ना देखून म्हजें तोंड खर्र करून देंवले.

110. तोंड घालप- मदींच उलोवप

वाक्य- पेंच करून तोंड घालपाची तुजी संवय केन्ना वतली गो?

111. तोंड तांबडें करप- राग येवप

वाक्य- दुस्मान तोंडा मुखार दिसलो काय तोंड तांबडें जाता.

112. तोंड देंवप- खंती जावप

वाक्य- चलो नापास जाल्ल्याची खबर आयकून आवय-बापायचें तोंड देंवले.

113. तोंड पडप- दुख्खी जावप

वाक्य- आयतारचेय काम करचे पडटा म्हण माधवाचे आयज तोंड पडला.

114. तोंड वांकडें तिकडे जावप- नाखूश जावप

वाक्य- वर्गांत पयलें आयले म्हूण सगळयांची तोंडा वांकडी तिकडी जाली.

115. तोंड सुटप- उलोवप

वाक्य- आयज बरेंच तुजें तोंड सुटला मरे.

**थ**

116. थतर वितर जावप- भंय दिसप

वाक्य- व्हड मनशां कडेन उलयतना मन थतर वितर जाताच.

117. थीर नदर उरप- एकेच कडेन पळेत रावप

वाक्य- माजर म्हाका थीर नदर दिवन पळयता.

**द**

118. दांत काडून खी खी करप- हांसप

वाक्य- भिकू सायकली वेल्यान पडलो म्हूण सगळ्यांनी दांत काडून खी खी केले.

119. दातवोंठ खावप- खूब तिडक येवप

वाकॎय- शंकर बायलेच्या तिडकीन दातवोंठ खावन उगी बसलो.

120. दांत चाबप- खूब तिडक येवप

वाक्य- गौरी मदींच उलयलें म्हूण आवयन दांत चाबले.

121. दाव्या दोळयान पळोवप ना- वासपूस करप ना

वाक्य- जयंत आपल्या भावंडाक दाव्या दोळयान लेगीत पळयना.

122. दीस वचप- गुरवार जावप

वाक्य- शोबनाक निकतेंच दीस गेल्यात.

123. दुकां गाळीत बसप- रडत रावप

वाक्य- कारण नासतना दुकां गाळीत बसपाची संवय जाल्या तुका.

124. दोन घांस तोंडांत कोंबप- मात्शें खावप

वाक्य- निखील बेगीबेगीन दोन घांस तोंडांत कोंबून कामाक गेलो.

125. दोन चार बरी फुलोवप- थापट मारप

वाक्य- रघून विठुचेर बरीं दोन चार फुलयलीं.

126. दोन दुकां गळप- ररडलेशें करून दाखोवप

वाक्य- आमी गांव सोडून वता म्हूण कांय शेजाऱ्यांनी दोन दुकां गळयलीं.

127. दोनाचे चार हात जावप- कुटूंब वाडप

वाक्य- मधूचें लग्न जावन दोनाचे चार हात जाले.

128. दोळे आसून कुड्डे आसप- न्याय दिवप ना

वाक्य- म्हजेर जाल्ल्या अन्यायाचेर मालक दोळे आसून कुड्डो जालो.

129. दोळे खमखमप- दुस्वास दिसप

वाक्य- घरप्रवेशा दिसां आमचें घर पळोवन थोड्या लोकांचे दोळे खमखमले.

130. दोळे जड जावप- न्हीद येवप

वाक्य- फांतोड जायसर काम करताले म्हूण आतां दोळे जड जावपाक लागल्यात.

131. दोळे मोटे करप- भंय घालप

वाक्य- सोयऱ्यां खातीर काडिल्लीं भजीं हांवें खालीं म्हूण आईन दोळे मोटे केले.

132. दोळे भरप- रडप

वाक्य- आपलो पूत आपल्या आवय-बापायची कुयदात घेता ती पळोवन तांचें दोळें भरून आयले.

133. दोळे भरून येवप- रडप

वाक्य- कोणाचीच मदत घेय नासतना तुवें हें काम पूर्ण केले म्हण म्हजे दोळे भरून आयले.

134. दोळे भितर वचप- न्हीद नाशिल्ल्या कारणान/ जिवितांत खूब त्रास आशिल्ल्याचें लक्षण

वाक्य- कंप्युटराचेर काम करून मंदाचे दोळे भितर गेल्यात.

वाक्य- मंजूक घरच्यांचो त्रास आशिल्ल्या कारणान ताचें दोळे भितर गेल्यात.

135. दोळो मोडप- फकांडा करप

वाक्य- बेश्टीच म्हजी फकांडा करून ताणें दोळो मोडलो.

136. दोळे फोडून तिडक मारप- खूब तिडक येवप

वाक्य- संपदाक संदेशाची दोळे फोडून तिडक मारता.

137. दोळे फोडून पळोवप - खूब तिडक येवप

वाक्य- आमगेर नवीं हाडिल्ली गाडी शेजारी दोळे फोडून पळोवंक लागले.

138. दोळें सारके उगडप- सत समजप

वाक्य- तो म्हजे गरजे वेळार पावूंक ना तेन्ना म्हजे दोळें सारके उगडले.

139. दोळयाक दोळो लागप ना- न्हीद पडप ना

वाक्य- सकाळ जायत मेरेन म्हाका कसलो तो दोळयाक दोळो लागप ना.

140. दोळयांक पदर लावप - रडपाचीं नाटकां करप

वाक्य- सासुमांय तापता म्हण सुनेन रोकडोच दोळयांक पदर लायलो.

141. दोळयांत उदक येवप- भावूक जावप

वाक्य- पयल्या पगाराची आवयक साडी हाडली म्हूण तिच्या दोळयांत उदक आयलें.

142. दोळयांत हुंवार येवप- रडप

वाक्य- आबुची अवतिकांय पळोवन दोळयांत हुंवार आयलो.

143. दोळयांतल्यान जीव गळून पडप- पुरो जावप

वाक्य- रातभर काम करून आतां दोळयांतल्यान जीव गळून पडला.

144. दोळ्यांनी न्हीद रकप- खूब न्हीद येवप

वाक्य- खूब दिसांनी आयज म्हज्या दोळ्यांनी न्हीद रकता.

**ध**

145. धारेर धरप - बरेंच तापोवप

वाक्य- आयज टिचरीन शिवाक बरोच धारेर धरलो.

**न**

146. नाक कात्रून वचप- लज करून वचप

वाक्य- नापास जावन आवय-बापायचे नाक कात्रू नाका.

147. नाक मुड्डप - दुस्वास दिसप

वाक्य- म्हाका नवो खोमीस हाडलो म्हूण भावान नाक मुड्डीले.

148. नाकसुरें वचप - नाका शेवट जावप

वाक्य- शेत कसोवन खाता म्हणसर शेतकाऱ्याच्या नाकसुऱ्या गेलें.

149. नाका जीव जावप- पुरो जावप

वाक्य- लाकडां भरो उखलता म्हणसर जीव नाका जालो.

**ठ**

150. ठाण मारून बसप- हट्टान बसप

वाक्य- पयशें घेवपाक रिणकार मंगल आकाच्या दारांत ठान मारून बसलो.

**प**

151. पडिल्ल्याक हात दिवप- संकटांत सांपडिल्ल्याक मदत करप

वाक्य- पडिल्ल्याक हात दिल्यार तुकां देव पावतलो.

152. पदरांत घेवप- आपणावप

वाक्य- तिणें एके अनाथ चलयेक पदरांत घेतली.

153. पयशांचो शिंवर जावप - खूब पयसो येवप

वाक्य- खण व्यवसायाक लागून तांगेर पयशांचो शिंवर जालो.

154. पाखां तोडप - फाटीं ओडप

वाक्य- फुडें सरपी मधूची पाखां ताच्या इश्टान तोडली.

155. पोटलो खावप - फटोवन घेवप

वाक्य- राधाक्काच्या सुनेन तिचो सगळो पोटलो खालो.

156. पोटांत भिरांतेन गुळी जावप - खूब भंय दिसप

वाक्य- येद्या मोट्या सोरपाक पळोवन भिरांतेन पोटांत गुळी जाली.

157. पांय आपटप - तिडक येवप

वाक्य- बापायन येतना बायेक कांय हाडूंक ना देकून तें पांय आपटीत भितर गेले.

158. पांय घराक लागप- घरांत भितर येवप

वाक्य- खूब दिसांनी तुजे पांय आमच्या घराक लागले.

159. पांयां तिडक कपलाक मारप- खूब तिडक येवप

वाक्य- वर्गांतल्या भुरग्यांचो बोवाळ पळोवन बाईची पांया तिडक कपलाक मारली.

160. पायांक फातर बांदप- बंदखणींत उरप

वाक्य- ह्या घरांत म्हाका पायांक फातर बांदिल्ले वरी दिसता.

161. पावस रूद्र रूप घेवन येवप- खूब पावस पडप

वाक्य- कुपांक पळोवन दिसता, आयज पावस रूद्र रूप घेवन येवपाक आसा.

162. पावलांक चाकां लागप- वेगान चलप

वाक्य- धांवपाचे सर्तींत मात दिनुच्या पावलांक चाकां लागतात.

163. पेटिल्ल्या होमखणांत उडकी मारप- स्वताक संकटांत घालप

वाक्य- त्या वाटेन वचून तू पेटिल्ल्या होमखणांत उडकी मार नाका.

164. पोट पिकप- गुरवार जावप/ खावंक जेवंक मेळप

वाक्य- शांतिचे पोट केन्नां सावन पिकला?

वाक्य- सत्यवानाचे पोट बरें पिकता.

165. पोट फाटीक तेंकप- अशक्त जावप

वाक्य- जेवना खायना म्हूण नानूचे पोट फाटीक तेंकला.

166. पोट सुटप- मोटो जावप / गिरेस्त जावप

वाक्य- खावन खावन पिटराचे पोट सुटला.

वाक्य- अजयागेर आतां पयसो आयला म्हूण पोट सुटला.

167. पोटाक चिमटो काडप- काटकसर करप

वाक्य- फिलोमिनान पोटाक चिमटो काडून हें घर बांदलां.

168. पोटाक मारप- खावप ना

वाक्य- उपास तापास करून पोटाक मार नाका.

169. पोल्यार तांबसाण पातळप- राग येवप/ लज दिसप

वाक्य- रमेशाची फकांडा केली म्हूण ताच्या पोल्यार तांबसाण पातळ्ळी.

वाक्य- रश्मीक रमेशाच्या नावान चाळयले म्हूण ताच्या पोल्यार तांबसाण पातळ्ळी.

**फ**

170. फाटीफुडें जावप - निर्णय घेवपाक अनमनप

वाक्य- रीण दिवचें पयली सावकार फाटीफुडें जालो.

171. फाटल्या फुडल्यान नाचप- काम सादोवपा सेवा करप

वाक्य- आजये कडल्यान पयशें घेवपाक बाबू तिच्या फाटल्या फुडल्यान नाचता.

172. फुलां माळप - काम सादोवप खातीर प्रयत्न करप

वाक्य- चॉक्लेटी खातीर बाबू आईक फुलां माळटां.

**ब**

173. बचक्यांत सांपडप - संकटांत सांपडप

वाक्य- रानांत गेल्लो रवी बचक्यांत सांपडलो.

174. बारीक नदर दवरप- बारीकसाणेन पळोवप

वाक्य- परिक्षे वेळार कोण नक्कल बी करीत म्हूण शिक्षक बारीक नदर दवरतात.

175. बुद्ध घाणाक दवरप - बुद्धीचो वापर करप ना

वाक्य- तुवें कितें तुजी बुद्ध घाणाक दवरल्या?

176. बे मारप - सुटी मारप

वाक्य- वाज येता म्हूण शाळेक आयज बे मारली.

177. बोटार नाचोवप - मना सारके करपाक लावप

वाक्य- कांय मालक कर्मचाऱ्यांक आपल्या बोटार नाचयतात.

178. बोंबले देठा सावन आड्डप- मोट्यान आड्डप

वाक्य- तो भुरगो सामको बोंबले देठासावन आड्डी मारतालो.

179. बोल्साक परवडप - मोडपा इतलो पयसो आसप

वाक्य- हांव बोल्साक परवडटा तितलोच बाजार करून आयलो.

180. बॉल्सा भरपाक गुल्ल – पयसो मेळोवपांत गुल्ल

वाक्य- समाजांत फटींग मनीस बॉल्सा भरपाक गुल्ल आसात.

**भ**

181. भिके दुवाळे लागप- गरिबी येवप

वाक्य- तांगेर भिके दुवाळे लागल्यात तरी लेगीत ती उमेदी आसात.

182. भुजांवयलो भार वाडप- काम चड वाडप

वाक्य- करुणान रजा घेतिल्ल्यान सुकांतिच्या भुजांवयलो भार वाडलो.

**म**

183. मन खावप - खेद / पश्चात्ताप जावप

वाक्य- म्हज्या कडल्यान ही चूक घडिल्ल्यान म्हाका म्हजें मन खाता.

184. मन मारप- मना सारके करपाक मेळप ना

वाक्य- फेरयेंतले खूब किते घेवपाक जाय आशिल्ले पूण हावें मन मारले.

185. मन ल्हव जावप- मनाक बरें दिसप

वाक्य- मनांतली गजाल सांगून आता म्हजें मन ल्हव जालें.

186. मन शेणप- आपल्याच विचारांत आसप

वाक्य- परेशाच्या यादीन आयज म्हजे मन शेणला.

187. मनाक कुसां कीड लागप- दुस्वास दिसप

वाक्य- पयलीं ताचो स्वभाव बरो आशिल्लो पूण आतां ताच्या मनाक कुसां कीड लागल्या.

188. मनांत खतखतप - मनांतल्या मनांत घुस्पप

वाक्य- विणाच्या मनांत विचारांचें खतखतप चालूच आशिल्लें.

189. मनांत दुबावाची पाल चुकचुकप - दुबाव उप्रासप

वाक्य- मनांत दुबावाची पाल चुकचुकली म्हणटकच घरांत झगडें पेट्टाच.

190. मनांत भरप - आवडप

वाक्य- टवटवीत गुलाबाचे फूल तिच्या मनांत भरले.

191. मनांत पाल चुकचुकूंक लागप- दुबाव घेवप

वाक्य- घरांत चोर बी येत म्हण बेश्टीच मनांत पाल चुकचुकूंक लागली.

192. मनान गिरेस्त आसप- स्वभाव बरो आसप

वाक्य- लक्षुमी कडेन पयसो नासूं पूण ते मनान गिरेस्त आसले.

193. मनार घेवप ना - रुची दाखोवप ना

वाक्य- प्राची आपले  आवयचीं उतरां मनार घेना.

194. मनांतली वाफ घालोवप- उलोवन मेकळें जावप

वाक्य- मनांत कांय दवरी नासतना आई मनांतली वाफ घालोवन उडयता.

195. मरसर काम करप - पुरो जायसर काम करप

वाक्य- कोमुलगे मरसर काम करता आनी मागीर जाम पडटा.

196. मळबाक गळटी लागप- खूब पावस पडप

वाक्य- ह्या दिसांनी मळबाक गळटी लागल्या शीं दिसता.

197. मायेची नदर भोंवडावप- मायेन पळोवप

वाक्य- माईन मायेची नदर भोवडायली कांय म्हाका बरें दिसता.

198. माजराच्या पांवलांनी वचप- सवकास चलप

वाक्य- चोर माजराच्या पावलांनी घरांत घुसलो.

199. माथें खरपप- येवजप

वाक्य- कितलें माथें खरपिलें तरी म्हाका हाचेर उपाय मेळना जालो.

200. माथें वयर काडप- अचानक खंयची तरी गजाल उपस्थीत जावप

वाक्य- आत्ता रिणांतल्या मेकळो जाल्लो पूण रमेशाच्या दुयेसान माथें वयर काडले.

201. माथ्यार बसप - अपेक्षेच्या भायर वागप

वाक्य- चड लाड केल्ल्यान निकिता आपल्या बापायच्या माथ्यार बसला.

202. माथ्यार बसोवप - खूब अपुरबाय करप

वाक्य- आपल्या एकसुऱ्या चल्याक तांणी बरोच माथ्यार बसयला.

203. माथ्यावेलो भार कमी जावप- काम कमी जावप

वाक्य- रसिकान आदार दिलो म्हूण म्हज्या माथ्यावेलो भार कमी जालो.

204. माडभर उसळप- भरपूर तापप

वाक्य- संतू भुरग्यांचेर माडभर तापलो.

205. मीठ उवाळप- दिश्ट काडप

वाक्य- श्यामल घरां येतकच आईन ताचे भोवती माठ उवाळ्ळे.

206. मोग आटप - मोग कमी जावप

वाक्य- आवयचो आपल्या भुरग्यां खातीरचो मोग केन्नाच आटचो ना.

207. मोगाचो पावस रकोवप- हिसपा भायर मोग करप

वाक्य- रेखान हयकार दिलो म्हणटकीर परेशान रेखाचेर मोगाचो पावस रकयलो.

208. मोगाची कळी फुलप- मोग जावप

वाक्य- जयू आनी जंयताची मोगाची कळी निकतींच फुलिल्ली.

209. मोव पडप - भावूक जावप

वाक्य- नातवा कडेन पावतकच कडक आजो मोव पडलो.

## र

210. रंग येवप - उमेद चडप

वाक्य- ताई आमगेर आयिल्ल्यान घराक रंग आयलो.

211. रागान दोळे कपलांत वचप- खूब राग येवप

वाक्य- दुस्मानाक पळोवनच उमेशाचे रागान दोळे कपलांत गेले.

212. लोंबकळत उरप - तिश्टावन उरप

वाक्य- कांय कार्यालयांनी कामा म्हयनो म्हयनोभर लोंबकळत उरतात.

## व

213. वनवास भोगप - त्रास भोगप

वाक्य- मंदान हॉस्पिटलांत सामको वनवास भोगिल्लो.

214. वादळ न्हिवंक ना - झगडी थांबूक ना

वाक्य- घरांतले वादळ अजून न्हिवंक ना.

215. वांकडी चाल - वायट मार्गार वचप

वाक्य- पूत वायट मार्गार चलता म्हण ताची आवय रडटा.

216. वाऱ्यार उलोवप - वयल्या वयर उलोवप

वाक्य- सुरंगीक सोमती कडेन उलोवपाक आवडना म्हूण तें ताचें कडेन वाऱ्यार उलयता.

217. वाऱ्यार सोडप- काळजी घेवप ना

वाक्य- आवय बापायन ह्या पोराक सामको वाऱ्यार सोडला.

218. विचार फांफडप- विचार करप ना

वाक्य- दादान तकलेंतले विचार फांफडून उडयलें.

219. विचारांच्या चक्रांत घुस्पप– खूब विचार करप

वाक्य- विणा घरांत एकले बसून विचारांच्या चक्रांत घुस्पल्ले.

220. वैभवांत लोळप - गिरेस्त आसप

वाक्य- अनंताचे कुटूंब सामकी वैभवांत लोळटा.

**श**

221. शक्त गळून पडप- अशक्त जावप

वाक्य- येदो व्हड घाट चडून विठायची शक्त गळून पडली.

222. शिरेन शीर फुलप- तिडक येवप

वाक्य- आपलो अपमान करता म्हूण रामप्पाची शिरेन शीर फुल्ली.

223. शी थू जावप - लज जावप

वाक्य- समाजांत शी थू जावचे पयली देवा म्हाका व्हर.

224. शीर रोखडीच तिट्ट जावप - रोखडीच तिडक येवप

वाक्य- आबू हरशीं मनांत बरो पूण शीर रोखडीच तिट्ट जाता.

225. शेण खावप - त्रासांत पडप

वाक्य- अभ्यास करूंक नाशिल्ल्यान तुवें आयज शेण खाला.

226. शेंपडेक उजो पेटप- घायी आसप

वाक्य- शेंपडेक उजो पेटिल्ले वरीं खंय धांवता?

227. शेळो घाम फुटप- भंय दिसप

वाक्य- फाल्या परिक्षा म्हूण कळटकच म्हाका शेळो घाम सुटलो.

**स**

228. संवसार सोडून वचप- मरप

वाक्य- अपघातान दोन मनीस संवसार सोडून गेले.

229. साखरेच्या सुरयेन गळो कापप-गोड उलोवन घातकीपणा करप

वाक्य- शांतीन निताचो साखरेच्या सुरयेन गळो कापलो.

230. सूर्य दोंगरा फाटल्यान वचप- तिनसांज जावप

वाक्य- सूर्य केन्ना दोंगरा फाटल्यान गेलो कळ्ळेच ना.

231. सोंडकुलार फुलोवप- तोंडार मारप

वाक्य- रश्मीन मवाल्याच्या सोंडकुलार फुलयले.

232. सोसपाची शीममेर नासप- सोसपाची तांक नासप

वाक्य- भुरग्याची तवनासपणां सोसपाची बाईची शीममेर उरली ना.

**ह**

233. हड्डे फुटसर रडप- खूब रडप

वाक्य- दु:ख सोसूंक जायना जावन सुमन एकदाचें हड्डे फुटसर रडले.

234. हट्टाक पेटप- हट्ट धरप

वाक्य- आपल्याक खेळणीं जायच म्हूण बाबू हट्टाक पेटलो.

235. ह्या बोटावयलें त्या बोटार काडप- गजाल लिपोवपांत फिन्न आसप

वाक्य- आपली चोरी धरली म्हूण सुर्यान रोखडेच ह्या बोटावयलें त्या बोटार काडले.

236. हाडां गरम आसप- तरणाटो आसप

वाक्य- हाडां गरम आसतात तेन्नाच आपल्या फुडाराची तडजोड करपाक जाय.

237. हाडां मेजून हातांत दिवप- येतिश्ट शेपलावप

वाक्य- गुंडान केशवाची हाडां मेजून हातांत दिली.

238. हात बोट घालप- मदत करप

वाक्य- घरांतलो वावर करपात भुरगीं हात बोट घालतात म्हण सिताकाकीक बरें पडटा.

239. हात बोट दिवप- मदत करप

वाक्य- आवयक मातशें हात बोट दियात.

240. हात वयर काडप - मदत करप ना

वाक्य- येन वेळार राघवान हात वयर काडले.

241. हांतरूण धरप - दुयेंत पडप

वाक्य- एकदा शांताबायन हांतरूण धरले ते ती केन्ना उठलीच ना.

242. हाता-तोंडा कडेन येवप - कश्टाचो फायदो मेळपाचो वेळ

वाक्य- शेतांलें पीक हाता-तोंडा कडेन येवचे पयलींच कोणें तरीं ताची नासाडी केली.

243. हातांत पानदुडू नासप- पयसो नासप

वाक्य- सगळो पगार सोपोवन आता म्हज्या हातांत एक पानदुडू ना.

244. हांसो फुलप - उमेद जावप

वाक्य- मामाक पळोवन आईच्या तोंडार हांसो फुलूलो.

245. हुस्क्याचो भार माथ्यार येवप- अती हुस्को जावप

वाक्य- घरांत खावपी तोंडा वाडिल्ल्यान सितारामाच्या माथ्यार हुस्क्याचो भार आयलो.

246. हूं-चूं करप ना- ओगी रावप

वाक्य- हूं-चूं करी नासतना प्रताप घरांत आयलो.

247. हुस्क्यान करपप- खूब हुस्को जावप

वाक्य- रात जाली तरी पूत घरां येवंक ना म्हूण आवय हुस्क्यान करपली.

# प्रकरण 4: म्हणी- व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी

## 4.1. म्हणीची व्याख्या:

सखाराम शेणवी बोरकार आपल्या अनन्यांतल्या लेखांत 'गोंयांतल्या व्यक्तींच्या आनी वाठारांच्या नांवांचेर आदारिल्ल्यो म्हणी आनी वाक्प्रचार' ह्या म्हणीची व्याख्या विशीं मांडटा: "म्हण म्हळयार भौसाक आयिल्लो रासवळ अणभव. म्हणींचें काम भैसाक सादूर करपाचें. एकट्याक आयिल्लो अणभव जेन्ना भौशीक रूप घेता तेन्ना 'म्हण' घडटा." (बोरकार, पान क्र. 110)

सखाराम शेणवी बोरकार आपल्या अनन्यांतल्या लेखांत 'कोंकणी म्हणीसागर' ह्या पुस्तकांत म्हणीची व्याख्या विशीं मांडटा: "म्हण म्हळयार अणभवांची खंत. अतिशय मार्मिकपणान, शक्य तितक्या मेजक्या उतरांनी ती विदारक सत्य प्रगट करता. तिका कोंकणींत, 'आदगत', 'ओपार' अशींय नांवां आसात" (पुंडलीक नायक, पान क्र. 41)

कँब्रीज शब्दकोश (Cambridge Dictionary) कोशा प्रमाण: "A short statement, usually known by many people for a long time, that gives advice or expresses some common truth."

(https://dictionary.cambridge.org/dictionary/learner-english/proverb)

(स्वैर अणकार: एक ल्हान विधान, चड करून जायत्या जाणांक बरोच तेंप खबर आसता, जें सल्लो दिता वा कांय सामान्य सत्य उक्तायता.)

## 4.2. म्हणींचे संकलन, अर्थावणी आनी देखी

1. अडेचें सवंग चड तेंप तिगना- दुसऱ्याची नक्कल करून वा विचार उश्णे घवन आपली छाप पडना.

2. आपलेच दांत आपलेच ओंठ- दोनूय पार्तो तितल्योच लागींच्यो आसतात तेन्ना जावपी दुविधा.

3. आवळो दिवन कुंवाळो काडप- ल्हान वस्त दिवन व्हडल्या वस्तुची अपेक्षा करप.

4. उमथ्या कळशार उदक – केल्ले यत्न फुकट वचप.

5. एके कोयतेक दोन थोरू बसनात- एका वेळार दोन कामां करपाक जायनात.

6. एकेच माळेचे मणी- एकाच सारखे वागप.

7. कांट्या बगर गोटो चसना- नुस्त्या शिवाय जेवण चलप ना.

8. कावळयान अडेचीं मोरपाखां चिकटायलीं म्हणून कावळयाचो मोर जायना- दुसऱ्या भशेन आव हाडलो म्हण ते व्यक्ती सारके वागप जायना.

9. खंय गेल्लो, खंयना, खंयचे कडेन कांयना- करपाक एक सोदप आनी जावप भलतेंच.

10. खांवचे दांत वेगळे आनी दाखोवपाचे दांत वेगळे- मनीस तुजें कडेन तोंडार बरो वागता म्हूण तो तुजें बरें चित्ताच अशें ना.

11. खाल मुंडी, पाताळ धुंडी- दिसपाक साधे पूण मालकिर्याद.

12. खाल्ल्या पानार हागप- बेमान जावप.

13. गरज सरू वैज मरू- गरज भागली कांय कोणाची पर्वा करप ना.

14. गाडयेची चाकां घुवली कांय पोटांत गोटे पडटात- कश्ट केल्ल्यार अन्न मेळटा.

15.गळोभर उदकांत बुडून काश्टी सुकी दाखोवप- काम करपाचे धोंग करप.

16.घोव आसून फक्त कुकमाक आदार- फक्त नांवा पुरतोच आदार दिवप.

17.घोवच जेन्ना बायलेचेर थुकता तेन्ना गांव थुकलो म्हणून दोष कोणाक दिवप- आपलोच मनीस जर मान दिना जाल्यार लोक सुद्दा मान दिनात.

18.चार आण्याचो गोबोर हाडप- विनाकारण पयसो मोडप.

19.चूड दाखोवन म्हारू घरांत हाडप- स्वताच्या चुकी खातीर त्रासांत पडप.

20.जाणटीं करतात पाप आनी भुरगीं दितात जाप- जाण्ट्यांच्या कर्मांचीं फळां भुरग्यांक भोगची पडटात.

21.जेवन जातकच जात कितें विचारप- काम साधतकच चवकशी करप.

22.ताळी एकाच हातान वाजना- खंयचीय गजाल घडपांत दुसऱ्याचीय मान्यताय आसता.

23.ते पदेर गेले आनी ते उंडेय गेले- तो काळ सोंपलो आनी त्या काळांतल्यो गजाल्यो फाटीं पडल्यो.

24.दिसता मडें येता रडें- गरज आसता थंय पावप ना. बेश्टोच मदत करपाचो आव हाडप.

25.दुसऱ्यांच्या दोळ्यांतले मुसळ पळोवचे पयलीं आपल्या पाया पोंदां कितें जळटा तें पळोवचे- दुसऱ्याच्या जिवितांत लक्ष दिवचें परस आपल्याचेर लक्ष दिवचें.

26.दुसऱ्याल्या पोशान उदक पिवप- दुसऱ्याच्या मदतीत आपले काम सादोवन घेवप

27.देव दिता आनी देंवचार नाडटा- फायदो जावन एके वटेन लुकसाण जावप

28.देंवचार वचूंक फाटीं सरता थंय मूर्ख वता- मूर्ख मनीस स्वताच आपल्याक त्रासांत घालून घेता.

29.दोळे आसून दोळ्यार कातडें ओडप- खरें-फट समजपाक अपयशी थारप.

30.धरल्यार चावता आनी सोडल्यार पळटा- खंयचोय पर्याय वेंचल्यार त्रास आसाच.

31.धांपली मूठ सव्वा लाखाची/ धांकिल्ली मूठ लाखाची - आपली पडटी बाजू कोणाक सांगप ना.

32.पानवेलीच्या निमतान म्हसकाक उदक- कोणा एकल्या खातीर दुसऱ्याचोय फायदो जाता.

33.पापयाक भिकेचे दुवाळे- लुकसाण करपाक लागप.

34.बारा बिरेस्तार करप- वाट लावप.

35.भटाक तारू आनी गाबत्याक गोरू न्हय- जाचे काम ताकाच सोबता.

36.भिकाऱ्यागेर भिकारी गेलो आनी हगतापसून मार मारलो- जाचे कडेन मदत करपाक जमपाक ना ताचे कडेन मदतीची अपेक्षा करप ना.

37.मनीस कालचो आयज, आयचो फाल्यां ना- मरण केन्नाय येवं शकता.

38.मदींच पडिल्लो दांत कसो उलोवप- दोन मनशां उलतना तिसऱ्यान उलोवप.

39.माजर दोळें धापून दूद पिता- आपूण कितें करता तें हेरांक कळना अशें दिसप.

40.मांस खाल्ले म्हणून हाड कोण गळयांत बांदिना- निती भायले काम करून ताची बडाय मारप न्हय.

41.मूग गिळून उग्गी बसप- गुपीत दवरप.

42.मोगाची ओड बळिश्ट आसत जाल्यार वादळा उपरांत सगळे निवळटा- मोगाचो साथ बरो आसत जाल्यार सगळीं संकटा पयस जातात.

43.रान्नीर बुडकुलो उडयलो काय पेज आपशींच शिजता- कश्ट केल्यार फळ मेळटाच.

44.रिकामें मन सैतानालें घर– उगी रावत जाल्यार नाका जाल्ले विचार करप.

45.रीण काडून सण करप- पयसो नासतना लेगीत झेत मारप.

46.रेड्या पाड्यांचें झूज आनी झाडांचेर काळ तशी म्हजी गत- कोणा दुसऱ्याच्या चुकी खातीर आपणाक ख्यास्त भोगची पडप.

47.शीता फुडें मीठ खावप ना- आदींच हुतहुतेपणा करपाक जायना.

48.शेणिल्ल्याचें मन धा कडेन- मनांत वेग वेगळे विचार करप.

49.सुकार लेगून दुखाक वेंगोवन रडप- फायदो मेळोवपा सोडून लुकसाण करून घेवप.

50.हाडली पड खाली पड- बीकट परिस्थितीक लागूक केल्ली काटकसर.

# प्रकरण 5: वेंचीक उतरां- अर्थावणी, संकलन आनी देखी

1. अरसीक- हयशीक

वाक्य- शी! असो कसो हो सामको अरसीक.

2. आव्हांताद- सुस्त

वाक्य- हेर लोकांपरस भिकू आव्हांताद जियेतालो.

3. कुमयेटां- दोर

वाक्य- दोन काजू खांदें मोडले आनी ताची कुमयेटां काडून ल्हानसो भरो बांदलो.

4. घुत्कार- आवाज

वाक्य- घुगमाचे भिरांकूळ घुत्कार.

5. जुंग- जाणटो

वाक्य- शाम रामा परस  बरोच जुंग आसा.

6. तस्रीप- इनाम

वाक्य- एकाच धेपांत रस्तो हुंपलो म्हूण तस्रीप दिवंक फावो तुमकां.

7. तिणकप- राग

वाक्य-किते जालां ते सांग तरी, बेठेंच तिणकेत रांव नाका.

8. नालक्षी- लज

वाक्य- चार चौगांत ताका हें विचरून आपली नालक्षी करून घेव नाका.

9. फाजेंद- तवनास

वाक्य- हो पोर सामको फाजेंद!

10.फार्फरांव- आल्मपेड्यार

वाक्य- तुकारामा सारकेलो फाफारांव लिलूक फटयतलोच.

11.फेय- लज

वाक्य- आमचे खातीर आमच्या पुताची फेय वचप न्हय.

12.भुजोणें- बावलो

वाक्य- शेताक नदर लागत म्हूण मदीं एक भुजोणें करून लायले.

13.हगुर- ल्हव

वाक्य- सुमित्रे आता मातशें हगुर दिसता गो?

14.शेक्री- शेकारो

वाक्य- घर बांदपाक शेक्री जाय पडटा.

# प्रकरण 6: समारोप आनी निश्कर्श

भाशेचें खाशेलेपण म्हळयार म्हणी आनी वाक्प्रचारांचो केल्लो वापर. संवसारांत वावुरतना मनीस जे अणभव घेता तें तो मार्मीक उतरांनी सांगपाचो यत्न करता. तातूंत पिळग्यां-पिळग्यांचो अणभव एकठांयिल्लो आसता. ह्यो म्हणी वा वाक्प्रचार कोणें रचल्यात हे जरी आमकां खबर ना तरी जिवितांतले सत सांगपाचें वा सारको मार्ग दाखोवपाचें कार्य जाता. तेंच खातीर कोंकणी भाशेंतल्यो म्हणी आनी वाक्प्रचार नवे पिळगेक खबर आसप गरजेचें थारता. ह्या हेतान "कोंकणी कथांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी" हो विशय प्रबंधिके खातीर हांवें निवडलो. ह्या अभ्यासाचो निश्कर्श सकयल दिल्ले प्रमाण आसा.

प्रस्तूत प्रबंधिका एकूण 6 प्रकरणांनी विभाजीत केल्या. ह्या वेगवेगळ्या प्रकरणांच्या माध्यमांतल्यान अभ्यासाची उद्दिश्टां पुराय करपाचो यत्न जाला.


**पयल्या प्रकरणांत,** कोंकणी कथांतल्या वाक्प्रचार, म्हणी आनी वेंचीक उतरांची अर्थावणी ह्या विशयाची प्रस्तावना, प्रस्न, अभ्यासाची उद्दिश्टां, अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा, साहित्य नियाळ, सोद वावराची पद्दत, प्रबंधिकेची उपयुक्तताय आनी प्रकरणाची मांडावळ आसा.

**दुसऱ्या प्रकरणांत,** कथा- व्याख्या, घटक आनी इतिहास ह्या प्रकरणाच्या विशया खाला कथेची व्याख्या, कथेचे घटक, थोडक्यांत कथेचो इतिहास आनी कोंकणी कथेच्या इतिहासाची वळख घडोवपाचे काम केलां.

**तिसऱ्या प्रकरणांत,** वाक्प्रचार- व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखीह्या प्रकरणाच्या विशया खालावाक्प्रचाराची व्याख्या, कोंकणी कथांतल्या वाक्प्रचारांचें संकलन, अर्थावणी आनी देखी दिल्यात.

1. लेखक कोंकणी कथांनी वाक्प्रचारांचो वापर खूब प्रमाणांत करता. हातूंत चडशें काळीज, मन, दोळें, कान, तोंड, नदर, जींव, आंग, उतरां अश्या कांय उतरांक संबंधून वाक्प्रचार आयल्यात. देखीक- ‘काळीज रडप’, ‘कच्च करून आंग काडप’, ‘तकलेंतली शीर तुटप’, आदी. ह्या वाक्प्रचारांचो वापर चडश्या कथांनी जाला.

## तकटो क्र.6.1 .: एका वाक्प्रचारांचो वापर कितले फावटी जाला?





2. कांय कथाकार अलंकारीत भाशेचोय वापर करतात. जंय अलंकारीत भास आनी वाक्प्रचार वळखपाक आडखळ येवं येता. देखीक- 'दुख्ख दोळयांतल्यान ओतप' (अलंकारीत भास) आनी 'दोळयांक पदर लावप' (वाक्प्रचार)

3. कांय वाक्प्रचार अशेंय मेळ्ळयात जे खासा त्याच वाठारांत मेळटात. तांचो अर्थ लेगीत खेरीत सापडटा. देखीक- 'पोट पिकप'- गुरवार जावप आनी दुसरो अर्थ खावंक जेवंक मेळप. तशेंच 'कावळो आफुडलो ना'- वासपूस करप ना आनी मासीक पाळी अश्याय अर्थान येता.

4. दशका प्रमाण पळयले जाल्यार कथा संग्रहांनी वाक्प्रचारांचो आंकडो वाडत वता.

**तकटो क्र.6.2 .:दशकां प्रमाण लेखकांनी केल्लो वाक्प्रचारांचो वापर**





5. कांय कथाकार चड प्रमाणांत वाक्प्रचारांचो वापर करतना मेळटात ते चंद्रकांत केणी, एन. शिवदास, दामोदर मावजो आनी भालचंद्र गांवकार.

6. बायल कथाकारां मदीं ज्योती कुंकळकारान चड प्रमाणांत वाक्प्रचारांचो वापर केला.

7. बायल कथाकारां परस दादले कथाकार चड प्रमाणांत वाक्प्रचारांचो वापर करतना मेळटात.


8. अभ्यासा खातीर निवडिल्ले नवीन कथाकार वाक्प्रचारांचो वापर कमी प्रमाणांत करतात. देखीक जोफा गोन्साल्वीस आनी नरेश नायक.

## तकटो क्र. 6.3.1.: अभ्यासा खातीर निवडिल्ल्या दर एके कथेंत मेळिल्ल्ले वाक्प्रचार




| | दामोदर मावजो | चंद्रकांत केणी | माया खरंगटे | शीला कोळंबकार | पुंडलीक नायक | भालचंद्र गांवकार | ज्योती कुंकळकार | एन् शिवदास |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| #REF! | 1 | | | | | | | |
| Column5 | 48 | | | | | | | |
| Column4 | 23 | | | | | | | |
| Column3 | 15 | 158 | 29 | 43 | | | | |
| Column1 | 10 | 41 | 19 | 72 | 64 | 98 | 96 | 35 |

## तकटो क्र. 6.1.2.: अभ्यासा खातीर निवडिल्ल्या दर एके कथेंत मेळिल्ल्ले वाक्प्रचार





| | जयमाला दणायत | महाबळेश्वर सैल | मीना काकोडकार | जोफा गोन्साल्वीस | दीपा मुरकुंडे | हेमा नायक | अ ना म्हांबरो | नरेश नायक |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| Column1 | 35 | 41 | 15 | 15 | 34 | 72 | 29 | 19 |

**चवथ्या प्रकरणांत,** म्हणी- व्याख्या, संकलन, अर्थावणी आनी देखी ह्या प्रकरणाच्या विशया खाला म्हणीची व्याख्या, कोंकणी कथांतल्या म्हणीचें संकलन, अर्थावणी आनी देखी दिल्यात.


1. लेखक कोंकणी कथांनी म्हणींचो वापर करतना मेळटाजंय वाक्प्रचारांचो आंकडो चड आसा . .जाल्यार ताच्या तुळेन म्हणींचो कमी वापर केल्लो मेळटा
2. चडशें सदच्या जिणेंत घोळपीच म्हणीं ह्या कथांनी पळोवपाक मेळटात -देखीक .'शीता फुडें मीठ खावप ना' ,'आपलेंच दांत आपलेंच ओठ' ,'माजर दोळें धापून दूध पियेता'.आदी ,
3. तशेंच कांय म्हणीं अश्यो मेळळ्यात जंय कांय कडेन उतरांचो फरक जाणवता पूण म्हणी वा तांचो अर्थ समान आसा. देखीक- धांपली मूठ सव्वा लाखाची/ धांकिल्ली मूठ लाखाची.
4. दशका प्रमाण अभ्यास केल्ल्यार समजता, म्हणींचो वापर वाडत गेला.

**तकटो क्र. 6.4. दशका प्रमाण लेखकांनी केल्लो म्हणींचो वापर**




5. चड प्रमाणांत शीला कोळंबकार, नरेश नायक, आनी दीपा मुरकुंडे हांणी म्हणींचो वापर केलां.जाल्यार हेर लेखकां कडेन तुळा करून पळयल्यार दामोदर मावजो, गजानन जोग, पुंडलीक नायक आनी चंद्रकांत केणी हांणी खूब उणो म्हणींचो वापर केलां.
6. नवीन कथाकार जशें नरेश नायक हांणी आपल्या कथांनी म्हणींचो उपाट वापर केला. ह्यो म्हणी चडश्यो कोंकणी मनशांच्या सदच्या जिणेंत घोळपी आसात.

**तक्टो क्र. 6.5. दर एका कथाकारान आपल्या कथा संग्रहांत वापरिल्ल्यो म्हणी**



**पाचव्या प्रकरणांत,** वेंचीक उतरां- संकलन, अर्थावणी आनी देखी ह्या प्रकरणाच्या विशया खाला कोंकणी कथांतल्या वेंचीक उतरांचें संकलन अर्थावणी आनी देखी दिल्यात.

1. अभ्यास करतना ज्या नवीन उतरांचो उल्लेख कथांनी आयला तांचे अर्थ काडल्यात. जी उतरां शब्दकोशांत ना आनी त्याच वाठाराक धरून आसात तींच उतरां निवडल्यात.
2. नवीन उतरां खूब कमीं मेळटात. हाचें कारण म्हळयार चडश्या उतरांचो अर्थ कोंकणी शब्दकोशांत मेळटा.
3. कांय लेखकांच्या कथांनी नवीं उतरां मेळटात ते एन. शिवदास, जयमाला दणायत आनी नरेश नायक.
4. कांय अशींय उतरां मेळ्ळयात जंय एका उतराक दुसऱ्या वाठारांत वेगळे उतर आसा. देखीक- जुंग- जूनवा जाण्टो, शेक्री- शेकारो.

**सव्या प्रकरणांत,** समारोप करून निश्कर्श मांडल्यात. तशेंच संदर्भावळ जोडल्या. निश्कर्श मांडपाक तकट्यांचो आदार घेतला. तशेंच म्हजी निरिक्षणां मांडल्यात.

# संदर्भावळ:

## कोंकणी संदर्भ

1. काकोडकार, मीना. *सपनफुलां*. कुळागर प्रकाशन, मडगांव- गोंय, 1990
2. कानोळकार, बाळकृष्णजी. *क्षः समिक्षेंतलो*. परा-प्रतिमा प्रकाशन, पेडणें-गोंय, 2008
3. कुंकळकार, ज्योती. *चित्रांतलें वादळ*. अपुरबाय प्रकाशन, वळवय-गोंय, 1996
4. केणी, चंद्रकांत. *व्हंकल पावणी*. कुळागर प्रकाशन, मडगांव- गोंय, 2006
5. केणी, चंद्रकांत. *रुपां आनी रुपडी*. कुळागर प्रकाशन, मडगांव- गोंय, 2006
6. केणी, चंद्रकांत. *साहित्य स्वाध्याय*. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय, 2007
7. केळेकार, गुरुनाथ. *इंग्लीश – कोंकणी शब्दकोश*. Focus Press Private Limited, Banglore, 1994
8. कोळंबकार, शीला. *कथाशील*. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय, 2007
9. खरंगटे, माया. *घोंटेर*. श्री. हरी प्रकाशन, नावेली-गोंय, 2007
10. खरंगटे, माया. *ओली फांतोड*. मोहीत प्रकाशन, मडगांव-गोंय, 2019

11.खोलकार, रेश्मा. *दामोदर मावजो हांच्या कथांतल्या पात्रांचो मानसशास्त्रीय नदरेंतल्या अभ्यास*. गोंय विद्यापीठ, ताळगांव-गोंय, 2017

12.जोग, गजानन. *खांद आनी हेर कथा*. बिम्ब प्रकाशन, आगशी-गोंय, 2014

13.दणायत, जयमाला. *झोंपाळो*. राजाई प्रकाशन, केपें-गोंय, 2016

14.धुंगट, मनोहर. *कोंकणी म्हणीसागर*. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय, 2003

15.गांवकार, भालचंद्र. अंदल्ले उस्वास. मित्र प्रकाशन, बेतोडें-गोंय, 2001

16.गांवकार, भालचंद्र. *साहित्य.* मित्र प्रकाशन, फोंडे- गोंय, 1998

17.गोन्साल्वीस, जोफा. *निर्णय*. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय, 2010

18. घाणेकार, दिलीप. *कोंकणी सचित्र अश्टांगी अभ्यासकोश.* राजहंस वितरण, पणजी- गोंय, 2007

19.देशपांडे, कमलादेवी राव. म्हणी फाटली काणी. तन्वी ग्राफिक्स, मडगांव-गोंय, 1998

20.धुंगट, मनोहर पै. कोंकणी म्हणीसागर. गोवा कोंकणी अकादेमी, बोरी फोंडे-गोंय, 2003

21.धुंगट, मनोहर पै. कोंकणी म्हणीसागर. गोवा कोंकणी अकादेमी, बोरी फोंडे-गोंय, 2016

22.धुमे, म. वि. *साहित्य शिल्प शोध निबंध*. गोंय कोंकणी अकादेमी, पणजी- गोंय, 1995

23.नायक, अनुरा. वेंचिक कोंकणी म्हणींतल्यान समाज दर्शन. गोंय विद्यापीठ, ताळगांव-गोंय, 2016

24.नायक, जयंती. *अथांग*. राजाई प्रकाशन, केपें-गोंय, 2002

25.नायक, नरेश. *गांवमन*. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय, 2010

26.नायक, प्रकाश. *कथाकार चंद्रकांत केणीः एक  मुल्यांकन*. गोंय विद्यापीठ, ताळगांव-गोंय, 2010

27.नायक, हेमा. *पसय*. अपुरबाय प्रकाशन, वळवय-गोंय, 1982

28.नायक, शीला. *ओली सांज.* जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय, 1973

29.डिकोस्टा, फनिशा. *शणै गोंयबाबाच्या रुपांतरीत नाटकांनी आयिल्ली उतरावळ, वाक्प्रचार आनी म्हणी*. गोंय विद्यापीठ, ताळगांव-गोंय, 2017

30.प्रभू, आर.एस. कोंकणी म्हण्यां सोरू. केरळ कोंकणी अकादेमी, केरळ, 1985

31.बुडकुले, किरण. *साहित्य नियाळः अंतरंग आनी कायारुपां.* ॐ श्री दत्त पद्मजा प्रकाशन, काणकोण-गोंय, 1998

32.बोरकार, सखाराम शेणवी. ‘कोंकणी म्हणीसागर- दुसरी आवृत्ती’,अनन्य, जयंती नायक. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय, 2016

33.बोरकार, सखाराम शेणवी. 'कोंकणी म्हणी आनी वाक्प्रचारांतली जीब',बिम्ब, दिलीप बोरकार, पणजी-गोंय, 2021

34.बोरकार, सखाराम शेणवी. 'कोंकणी म्हणी आनी वाक्प्रचारांतली फळ-फळावळ',बिम्ब, दिलीप बोरकार, पणजी-गोंय, 2021

35.बोरकार, सखाराम शेणवी. 'कोंकणी म्हणी आनी वाक्प्रचारांतलो पावस',बिम्ब, दिलीप बोरकार, पणजी-गोंय, 2021

36.मल्ल्या, एन. पुरषोत्तम. कोंकणी म्हणी. केरळ कोंकणी भाशा प्रचार सभा, केरळ, 1979

37. महाले, काशिनाथ. *कोंकणी उतरावळ*. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी- गोंय, 1995

38.म्हांबरो, अना. *पणजी आतां म्हातारी जाल्या*. कुळागर प्रकाशन, मडगांव-गोंय, 1985

39.मावजो, दामोदर. *गांथन*. जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय, 1971

40.मावजो, दामोदर. *रुमडफूल*. राजहंस वितरण, पणजी-गोंय, 1989

41.मावजो, दामोदर. *भुरगीं म्हगेलीं तीं*. अस्मिताय प्रतिश्ठान, मडगांव-गोंय, 2001

42.मावजो, दामोदर. *तिश्ठावणी*. संजना पब्लिकेशन्स, सांगे-गोंय, 2020

43.मुरकुंडे, दीपा. *उमजणी*. श्री हरि प्रकाशन, नावेली-गोंय, 1998

44.वालावलीकार, शांताराम. *'गोमन्तोपनिषत् पैलें खंड 'समग्र शणै गोंयबाब खंड 3*. गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी-गोंय, 2006

45.वेरेंकार, श्याम. *गोंयच्या लोकवेदाचो रुपकार*. गोवा कोंकणी अकोदेमी, पणजी-गोंय, 1991

46.शिवदास, एन. शिवकथा. रूद्र प्रकाशन, पणजी-गोंय, 2016

47.शेणै, बस्ति. *कर्नाटकांत उलोव्चे कोंकणी शब्द संग्रह*. बस्ति प्रकाशन, बांटवल- कर्नाटक, 2002

48.सरदेसाय, मनोहरराय. *साहित्य सुवाद*. राजहंस वितरण, पणजी-गोंय, 1993

49.सरदेसाय, मनोहरराय. *इंग्लीश- कोंकणी शब्दकोश*. गोवा कोंकणी अकादेमी, फोंडे- गोंय, 2003

50.सुखटणकर, शांता. कोंकणी म्हण्यो. अशोक प्रिंटींग प्रेस, मुंबय, 1995

51.सैल, महाबळेश्वर. तरंगां. जाग प्रकाशन, प्रियोळ-गोंय, 1991

**इंग्लीश संदर्भ**

1. Borkar, Suresh. Thali, Mukesh, Ghanekar ,Damodar .*Rajhauns Konkani English Illustrated Dictionary VOL 2* .RajhaunsVitaran ,Panaji Goa ,2001

2. Fatma, Gulnaz. *A Short History of the Short Story: Western and Asian Traditions*. Modern History Press, 2012, p.2-3
3. Maffei, Angelus. *An English-Konkani Dictionary*. Asian Educational Services, New Delhi, 1983
4. Pinto, J. M. *English Konkani Pocket Dictionary.* Asian Educational Services, New Delhi, 1988

**हिन्दी संदर्भ:**

1. पंवार, ईसरा राम. *मजल अँचल की कहानियां*. बूक्सक्लिनीक पब्लिशींग, छत्तिसगड, 2023

**मराठी संदर्भ:**

1. लांडगे, शिरिष. पवार, दिलीप. सांगळे, संदीप. *समकालीन मराठी कथा.* अक्षरबंध प्रकाशन, पुणे, 2019

## ऑनलायन संदर्भ:

1. https://dictionary.cambridge.org/dictionary/english/short-story?q=short+stories
2. https://dictionary.cambridge.org/dictionary/learner-english/proverb
3. https://dictionary.cambridge.org/dictionary/learner-english/idiom?q=idioms
4. https://www.oxfordlearnersdictionaries.com/definition/english/idiom?q=Idioms
5. https://www.oxfordlearnersdictionaries.com/definition/english/idiom?q=Idioms